पुंडलीक नायक



1223
Dr-DEV
PUN

भुवननाय

149

c01223

A 1298

(149)

001823
A novel
Konkani in Devanagari
-ary Script-
Konkani.

L:B01 - A05 (Dev. Pd)

मुक्ललाय

पुंडलीक नारायण नायक
हांगेलें साहित्य

नाटकां

खण खण माती
रक्तखेव
राखण
सूरींग
सुर्यसांवट
देमान्द
मुक्तताय
शबै शबै भौजनसमाज
पिंपळ पेटला
श्री विचित्राची जात्रा

अेकांकी संग्रह

गांवधनी गांवकार
चौरंग

बाल नाट्य

रानसुंदरी
आळशांक वाग खातलो

अेकपात्री

छप्पन्न थिगळी येसवंत

कविता

गा आमी राखणे

कथा

मुठय
पिशान्तर

नवल कथा/नवलिका

अच्छेव
बांबर
वसंतोत्सव आनी दायज

अणकारीत

काजी नजरुल इस्लाम

1223
Dr: Dev
Prn

778(KD-278)

१५१

BOOK DONATED TO:
★ VISHWA KONKANI KENDRA★
BY: J. B. MORAES

तीन आंकी

मुक्तताय

पुंडलीक नारायण नायक

अपुरबाय प्रकाशन

© हेमा पुंडलीक नायक

पयली अुजवाडावणी :

सप्टेंबर १९८६

अुजवाडावपी :

हेमा पुंडलीक नायक
अपुरबाय प्रकाशन
वळवय - फोंडें, गोंय
४०३ ४०१

छापपी :

हिरू नारायण नायक
अपुरबाय प्रिंटर्स
वळवय - फोंडें, गोंय
४०३ ४०१

ब्लॉक मेकर्स :

अजीत प्रोसेस
बेळगांव

मुखपृष्ठ :

श्रीधर कामत बांबोळकार

चत्राय :

ह्या नाटकाचो प्रयोग, रुपकार, ध्वनी मुद्रण आदि सगळे तरेचे हक, हेमा पुंडलीक नायक हांचेकडेन आशिल्ल्यान त्या खातीर तांची लिखित मान्यताय घेवप गरजेचें आसा.

मोल :

पंदरा रुपया

A, PUN N86

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
1298

श्री राजेंद्र आमोणकार ...

तेन्ना तुवें
माथ्यार घेवन नाचलेल्या
त्या खिणांचो
आतां अितिहास जातलो

लेखकाचीं दोन अुतरां

पांच नाटकांचो संच

देमान्द, मुक्तताय, शबै शबै भौजनसमाज, पिंपळ पेटला आनी श्री विचित्राची जात्रा हीं म्हजीं पांचूय नाटकां आज अेकाच वेळार अेंका संचान अुजवाडाक येता. हाचे आदीं पुराय स्वरूपाचीं पांच नाटकां पुस्तक रूपान उजवाडाक आयिल्लीं आसात.

१९७६ ते १९८६ ह्या अेका दशकांत हांवें अेकूण धा स्वतंत्र नाटकां बरयलीं. धावूय नाटकां रंगमाचयेर जैतिवंत जावन दर अेका नाटकाचे अेका परस अदीक कितलेशेच प्रयोग जावपाक पावले.

मुक्तताय

हें नाटक सानमाची पणजी संस्थेन रंगमाचयेर हाडलें. पयलो प्रयोग गोंय कला अकादमी नाट्य सर्तित सादर केलो. सर्तिउपरांत गोंयच्या वेगवेगळ्या भागांत कोंकणी नाट्यमहोत्सवांत ताचे कांय प्रयोग संस्थेन सादर केले. सर्तिचो प्रयोग सोडल्यार हेर प्रयोगांच्या वेळार नाटकाचो शेवट सद्याक दाखयला ताचे परस वेगळे तरेन दाखयताले तो असो ----

तिस-या अंकांत निमाणेकडेन भाटकार शिगम्यांच्या खेळचांमुखार अुबो रावन गाराणें घालता. गाराणें सोंपयता आनी आपणाले गेल्लें सगळें वैभव परत आयलें म्हण संतोसून हांसता. हांसतां हांसतांच ताका काळजाचो खर आताक येता. (पयल्या आनी दुसऱ्या अंकाच्या शेवटाक भाटकार रागान तोल वचून किशोराचेर थापटां फुलयता तेन्ना ताका काळजाच्या आताकाचे दोन सादे झटके येंतात अशें दाखयिल्लें. ताका लागून तिसरो खर आताक समर्थनीय थरता.) ह्या आताकान तो ओल्तेरार कोंसळटा. अर्थांत त्याच भेसान. एक हात तसोच माथ्थाच्या फेटयाक आनी एका हातांत तरसाद. इतल्यान किशोर धांवत येता. बापूय अंतरलो म्हणपाची खात्री पडटकूच सुस्कारुन म्हणटा – मुक्ती ! आनी हांगां निमाणो पड्डो घालून नाटक सोंपयिल्लें. अर्थांत हो बदल म्हजे मान्यतायेनूच घडयिल्लो.

आज पयल्या प्रयोगाचोच शेवट ह्या नाटकाक दाखयला. कोणाय दिग्दर्शकाक हो दुसरो शेवट मानवलो वो योग्य दिसलो जाल्यार ताणे तो दाखोव येता.

वळवय–गोंय

– पुंडलीक नारायण नायक

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001223

ह्या नाटकाचो पयलो प्रयोग सानमाची पणजी हे गोंय कला अकादमीच्या ४ थ्या कोंकणी नाट्यमहोत्सवांत, ता. २५–३–१९८० दिसा, रातच्या ९-३० वरांचेर कला अकादमी थेटरांत (पोन्ने) सादर केलो.

प्रयोगांतले कलाकार

भाटकार : भरत नायक
किशोर : विनयकुमार वेलींगकार
अंता : राजेंद्र आमोणकार
प्रताप : मांगिरीश पै रायकार
ऋुक्ष : देविदास काकोडकार
कांचन : भारती तळावलीकार
खेळो : प्रताप आमोणकार
माणिक : गीता [illegible]ायक बिठ्ठोणकार
उदकाची प्रतिमा : शर्मिला राव
दिग्दर्शक : दिगंबर शिंगबाळ
नेपथ्य : दिलीप धामस्कार
[illegible]ड येवजण : विनयकुमार पै रायकार
[illegible]जा येवजण : अुल्हास पै रायकार

सतित ह्या नाटकाक प्रयोगाचें तिसरें, दिग्दर्शनाचें दुसरें, अभिनयाचें पयलें अिनाम (भरत नायक) आनी हेर कांय अिनामां फाव जाल्ली.

चे दोन साद

आंक : पयलो

(सरदेसाय भाटकारालें घर. बसपाचें साल. माचयेच्या फाटल्या भागाक देड-दोन फूट अुंचायेची पडवी. पडवेक भायल्यान लाकडी गराद. पडवेर अेक दोन कदेली. सालांत कांय कदेली आनी मेज. भाटकाराक बसपाक ह्लालतें ओल्तेर. अेके कुशीक रांदचे कुडीचें दार. त्याच दाराचे कुशीक आनीक अेके कुडीचें दार. दुसरे वटेन माळयेची अिस्काद दिसता. वण्टीर मेरवाचो शिंगाडो. जाणटेल्यांच्या फोटोंचीं कांय पांयजेलां.
सकाळच्या सातेक वरांचो वेळ पड्डो वयर सरता तेन्ना माचयेर कोणूच नासता. कांय वेळान भायरसावन भाटकार सरदेस[illegible] येता आंगोस्तर आनी मलमलचें खोमीस असो भेस ह[illegible]न रोत. गळयांत भांगराची सरपळी. भाटकार हांगां-थंय नदर मारता ओल्तेरार बसता. झेल घेता. कुशीच्या जनेलांतल्यान रेंदराच्या कातारांचीं अुतरां कानार पडटात.

जोडून जोडून जोडून तुका पुरी पावचें ना
हड्ड्यार सगळें मारुन घेवन वचोंक जावचेंना
सांठावन सांठावन दवल्लेलें सासणां अुरचें ना
अुदकाच्या पोटांत गेल्या बगर रावचेंना

कांतार आयकताना भाटकाराक राग येता. अितल्यान अंता दुदाचो पेलो घेवन येता.)

भाटकार : अंता ऽऽ

अंता : भाटकारा.

भाटकार : हो कोण रे, कांतार म्हणटा तो ?

अंता : रेंदेर.

भाटकार : कांतार रेंदेर म्हणटा म्हण ज[illegible] हांव केदी कापाजदाद ताची !

अंता : हय भाटकारा, अितले माड काडप, वयल्यान खोशयेन कांतार म्हणप.

भाटकार : चुड्टी लाय ताचे खोशयेक. ताचीं अुतरां हांगा म्हज्या कानांर सादतात आनी तरी आसताना तो भीड-मूर्वत धरी नासताना गायता. कापाजदाद न्हय ताची ?

अंता : हय भाटकारा.

भाटकार : बंद कर तें जनेल.

अंता : (जनेल धांपीत) भाटकार, जनेल बंद केलें म्हण ताचें कांतार बंद जायत ?

भाटकार : म्हज्या मनांत आयल्यार व्हांवतो झरो लेगीत बंद करूं येता. कोणाले माड काडटा तो ?

अंता : कामतीचे.

भाटकार : कामतीक सांगून बंद करता ताचे माड. नाजाल्यार कामतीचें भाटूच मोलायतां.

अंता : गरीबाच्या पोटार कित्याक पांय दितात ?

भाटकार : जीब सारकी चलूं दी.

अंता : चूक जाली भाटकारा.

भाटकार : चुकीचें पानवळ जाणां तूं.

अंता : हय भाटकारा, बेस बरें.

भाटकार : किशोर आनी कांचन अुठूंना आजून ?

अंता : व्हदळ अुठल्यां. दोगांय माळयेर आसात.

भाटकार : माळयेर कितें करतात ?

अंता : (आडखळत) माळयेच्या जनेलांत बसून रेंदराचीं कांतारां आयकतात.

भाटकार : (सुस्कारून) कसल्यो भिकारभासो येवजतात रे हांकां ! कांतारां आयकुपा खातीर रेंदराक पोसपाक लेगीत फाटीं नात ही भुरगीं.

अंता : किर पोसतात तशे.

भाटकार : अं.

अंता : किशोराक –

भाटकार : (दोळे तरांटून) कोणांक ?

अंता : किशोराक.
भाटकार : तुवें ताका किशोर म्हणपाक तुगेर कुळवाड्यागेर जल्मांक येंवना तो. भाटकारालो चलो तो, भागेल्यालो चेडो न्हय.
अंता : चूक जाली म्हाजी.
भाटकार : सुदार.
अंता : किशोर बाबाक –
भाटकार : अशें. कितें किशोरबाबाक ?
अंता : (आडखळत) अं . . . विसल्लों.
भाटकार : कितें सांगपाचें आसा तें पाठ करुन उलोवचें.
अंता : किशोराक – किशोरबाबाक त्या रेंदराचीं कांतारां खूब आवडटा.
भाटकार : तो माळयेर गेला ताचे वयल्यान समजलें. ते रेडिओबी व्हरुन पाण्टचार फोडात म्हणजे. कांतारां आवडटात खंय ! आपूण कोण, केदो, पळय नासतना कितेंय आवडून घेवप. आरे, फाल्यां भाटकाराल्या चल्यान तोराचे शिरेचो हट धल्ल्यार सोबत ?
अंता : ना भाटकारा भाटकाराल्या चल्यान मुड्याचो नाजाल्यार अख्या आंब्याच्या रूखाचो हट धरुंक फाव.
भाटकार : आयचे आयज वचून त्या रेंदराक शिटकाय. फायच्यान कांतार बंद. आयकना जाल्यार बायल-भुरगीं रस्त्यार पडपाची ख्यास्त भोगतली म्हणजे.
अंता : भाटकारा, भुरगीं ना तेका. पुण बायल मात आसा. मारी जाकीन !
भाटकार : मारी जाकीन ?
अंता : हय. आमगेर कामांक येता तें. तुयें म्हाका सांगून तेका मुद्दम आपोवन कामांक लावना ? तें मारी जाकीन.
भाटकार : बेकार आशिल्लें मरे तें ? म्हण सांगलें तुकां.
अंता : हय भाटकारा, बेकार आशिल्लें आनी तरणेंय आशिल्लें.
भाटकार : कितें उलयता ताचे धंगण आसा न्हय ?
अंता : हय भाटकारा, आमकां वावराक जुवान बायलांच लागता न्हू. म्हातुड्ड्यांकडेन आमचो वावर झेपपाचो आसा ?
भाटकार : चड जालें तुजें ! चल, वच तूं. पोरसूं शिंपून काड आनी वतना तें जनेल उकतें कर.
अंता : कांतार आयकूंक येंवचेंना ?
भाटकार : येवंदी, बरें थंड शितळ वारें येता त्या जनेलांतल्यान.

(अंता जनेल अुकतें करता.) अंता ऽ ऽ

अंता : भाटकारा,

भाटकार : आतां कुळागरांत पासय मारुन येतना तुज्या ठिकाणार नदर मारुन आयलो.

अंता : बरें केलें भाटकारा.

भाटकार : तुवें थंय कितें केलां, ताचेर नदर घालूं नजो.

अंता : कितें जालां ?

भाटकार : कितें जाला ? आरे, त्या कावथ्यांच्या मुळांत केन्ना अुदकाचो थेंबो शिंपडिल्लो ? ह्या पंदरा दिसांत तरी ना. धारोळचो गेल्या आळ्यांक. तल्लुकेचीं भाटां म्हळचार रानां वाडटात तशीं आपसूक वाडपाचीं ?

अंता : कितें जाता भाटकारा, हांव दिसभर हांगां वावराक अुरतां.

भाटकार : बायल कितें करता ?

अंता : फाटल्या दिसांनी तिज्या जिवाक बरें नाशिल्लें. आजून निवळूंना.

भाटकार : चेडो ?

अंता : तो ....

भाटकार : तो कितें करता ?

अंता : मामागेर दवल्ला तेका.

भाटकार : कितें करूंक ?

अंता : शि . . . शिकोंक.

भाटकार : वा ! आतां तुज्या चेडयाक शिकप जाय ! मागीर शिकून तो आमचीं भाटां-बेसां सांबाळटलो ? गावांत दळिद्री मनीस अुणें आसात म्हण तुकां त्या ठिकाणाचो भागेली केला ? आरे, पोरांक शिकोवपाचें आशिल्लें जाल्यार तांका भाटकारागेर जल्माक घालपाचे. जाका देवान जें काम नेमून दिलां तें जाणें-ताणें करपाचें, अशें आमचें शास्त्र सांगता पुण तें तुमकां बारीक लोकांक वाचपाक खंय येता ? तें वाचूंक शिकूंक जाय. तुमी भुरग्यांक शिकयता. आ . . . (अुलयतां अुलयतां आपूण घुस्पला म्हणपाचें मतिंत येता. सावरता) आं. ताचो पांय जालो रे सारखो ?

अंता : ना भाटकारा, तो कुल्पादूच अुल्लो.

भाटकार : नशीब ताचें. पांय मोडपाचे अित्सेन मारूंक नासलो हांवें

ताका. पुण रागाक दोळे नासता हेंच खरें. बाकी आंगानूय दुबळो आसलो तो. नाजाल्यार अशें जांवचें नासलें.

अंता : (न्हिन्नळटा) आसूं-आसूं तें भाटकारा.

भाटकार : आं. त्या कावथ्याच्या शिपण्यांचे मतित धर. म्हज्यान मरतल्या मनशाक पळोंव येता. झाडाची दैना पळोंव नजो.

अंता : तें जाणा हांव भाटकारा.

भाटकार : पोरसूं शिपून काड.

अंता : हय भाटकारा (भायर वता)

(माळयेरसून भाटकाराली चली कांचन सकयल येता. तें भायर वचपाक तयार जालां. नवे मोदीचो भेस.)

कांचन : पापा, सकाळच्या पारार खंय गेल्लो तूं ?

भाटकार : तुजो पापा आनीक खंय वतलो ? कुळागरांत आनी लागींलागींच्या भाटांत अेक पासय मारून आयलों.

कांचन : आजूच कित्याक गेल्लो ?

भाटकार : आजूच खंय ? सदांच वतां. आगो, भाट-बेंस म्हणटा ताचेर भाटकाराची नदर आसले बगर जाता ? आठ दीस वगी रावल्यार भर कुळागरांत कणक फुलूंक आसा.

कांचन : कणक फुलता ?

भाटकार : दुकाळाची नखलामी ती. (सुस्कारून) अंदू फुल्ल्या खंय कणक ! आं, सांग. हांव सकाळीफुडें कित्याक जाय आसलों तुकां ?

कांचन : हांव तुकां अेक मजा दाखोवपाचें.

भाटकार : कसली मजा ?

कांचन : सकाळींफुडें माळयेर सावन कितलो सोबीत दिसता देखाव. कुळागरात सूर्याचीं किरणा रिगतात तीं, सामके सोनेरी भाले रोमिल्ल्यावरी दिसतात. आनी तो रानशंकर, माथ्यार फुलांचे घोस माळून.

भाटकार : हें सगळें हांवें केन्नाच पळोंवक ना म्हण म्हाका दाखोंवक सोदी ? आगो, तुज्या पापानूच हें सगळें निर्माण केलां.

कांचन : पुण नवलायेन तुवें केन्ना हो देखाव तोखेला ?

भाटकार : हांवे फुलां जायतीं पळयल्यांत पुण फुलां सोबीत म्हण न्हय तर त्या फुलांत फळांच्यो बियो आसतात देखून. हें सगळें निर्माण केलां तुमचेखातीर. तुमच्या सुखाखातीर

ताचो सांबाळ तुमीच करपाचो आनी लावूय तुमीच घेवपाचो.

कांचन : जाणां पापा, ह्या सैमाचेर किशोरभाईन थोडचो कविता बरोंवक ना ! ताच्यो जायत्यो कविता छापुनय आयल्या, जायते जाण ताका कवी म्हण वळखतात. (भाटकाराक व्हडलेंशें रूचना) आमचे कॉलेजींत लेगीत वाङ.मय मंडळाच्या बसकांत ताच्या नांवाचो अुल्लेख जाता. ताची भयण म्हण सांगताना अभिमान भोगता म्हाका. पुण पापा, ह्यालीं ताच्या कवितांक अेक निराशेचो सूर आयला. आं, तुवे व्हदळ कणक फुलप म्हळचार दुकाळाची नखलामी म्हळळी न्हय? ताचे अेके कवितेंत असोच अुल्लेख आसा. आनी–आनी आज ताणें कितें केलें जाणा ! सकाळींफुडें अुठोवन म्हाका माळयेर व्हेलें. सभोंवतणचो सोबीत सुंदर देखाव दाखयलो. रेंदराचीं कांतारां मन लावन आयकुपाक लायलीं आनी काव्यमय अुतरांनीं म्हणपाक लागलो–

भाटकार : (रागान) बंद कर.

कांचन : (कांचवेन) पापा, कित्याक तिडकलो ?

भाटकार : कविता करता ! कितें फाल्त आसा म्हण कविता करता? हें आसा ते भाट-बेंस बरे तरेन सांबाळ म्हणजे. आनीक खंय कितींचे माळे चडोवपाची गरज ना.

कांचन : पापा, अशें कितें अुलयता तूं ?

भाटकार : त्या किशोराच्या गजालींनी लक्ष घालूं नाका तूं. तुजें शिकप वेवस्थीत कर. ह्या घराण्यांक फाव सारखी चलणूक दवर.

कांचन : पापा, ते खातीर तूं भियेंव नाका.

भाटकार : (फाट थापटीत) म्हजी गुणाची धूव ती. फाटल्या सप्तकांत मुंबयसावन प्रतापाची चीट आयिल्ली. तुज्या शिकपाची चवकशी केल्या.

कांचन : हांव प्रतापभाईकडेन अुलोपाक ना.

भाटकार : कित्याक गो ?

कांचन : कसलो व्हडलो भाव रे हो ? हांवें हाका कितल्यो चीटी बरोवप ! आनी हाणें अेक्कूय जाप बरोवप ना ? आनी आतां तुकां बरयिल्या पत्रान म्हजी वयलेदरा चवकशी केल्या. अुगडास तरी आसा खंय भयणीचो ?

भाटकार : ताचेर नाका गो शिणूंक. दोतोर न्हय तो? आनी तोवूय मुंबयत. फुरसत मेळना ताका.

कांचन : प्रतापभाई दिसता तसो नाच.

भाटकार : तसो खऱ्यांनीच मायेस्त तो. तूं अशें शिणटा म्हण कळ्यार फाल्यां येवपाक आसा.

कांचन : कांय गरज ना. कोण हारेला काय कितें! दोतोराक कोणें पळोंव ना?

भाटकार : तूं आनी अेक बाये! बरें ऽऽअुलोवपाक शिकलां. शिकप फुकट वचना तर तुजें.

कांचन अेक दीस दिसतलेंच तुकां.

भाटकार : तो दीस बेगीन येंव.

कांचन : खंयचो दीस?

भाटकार : तुज्या पराक्रमाचो, ज्या दिसा ह्या बापायचे दोळे धुवेच्या कर्तुबान दिपून वतले.

कांचन : पुण पापा, तेदेवेळार दोळे दिपावता म्हण धापूंक फावना आं.

भाटकार : शे! शे! दोळयांची निरंजना करीन त्या खिणांक.

कांचन : तशें जाल्यार पापा, आतां मात म्हाका म्हज्या कर्तुबाचेर येवजुचेंच पडलें.

भाटकार : येवजीय – येवजीय. पुण ह्या घराक फाव सारखें येवजीय. अितले बेगीनशें भायर सल्लें? आनी सकाळींच वचूंक जाय? दनपारां जेवन गेल्यार कॉलेजीक पावना?

कांचन : ह्यांवें सारखें शिकूंक जाय म्हण तूंच सांगता न्हय रे. आनी आतां अितले बेगीन वता म्हण विचारता? सुखा सुखी इतले सकाळी हे सुंदर मठयेंतल्यान पावलां आपसूक भायर पडटात म्हण समजलो तूं? पापा, सुटयेन घरा येता आनी सुटी काबार जांवचीच न्हय अशें दिसता. सुटी सोंपता तेन्ना जीव जडावता. पावलां अुखलना. दर फावटी ह्या घराचीं सोपणा देंवताना कुळार सोडून पयस वचपी चलयेची वेदना भोगता म्हज्या काळजाक.

भाटकार : येन्नादर हें घर सोडपाच्यो गजाली अुलोवपाक लागलें? तुज्या पापाक सोडून येन्नाच वतलें?

कांचन : ना पापा.

भाटकार : शीक बाये, बरे करून शीक.

कांचन : (लटको राग) शीक खंय ! हांगासावन हांवें आतां वचप कशें ? बसीन. ते बसीन मनशांनी बसपाचें ? दोणांत आंबल्यो चेपता तशें चेपपाचें, सगळयां बराबर. हागां हांव भाटकाराची धूव. बसींत देड रूपयाची पेसेंजर. फुडले खेप हांव बसींत वचपाक ना. मुंबयत प्रतापभाईक बरें ऽऽ गाडयेन भोंवपाक मेळटा.

भाटकार : तुकां गाडी जाय मुगो ? मागीर अितलो लांब शेरमांव कित्याक सांगपाक जाय ? तुकां हावें केन्नाकाळा कितें फाल्त केलां ? तुकां गाडी हांव घेवन दितलों. पुण थार धर. गाडी तुकां लग्नाक.

कांचन : कोणाच्या लग्नांक ?

भाटकार : अेके राजकुंवरीच्या.

कांचन : तो मेरेन बसीन भोंवप ?

भाटकार : अशी लग्नांक चड वर्सां खंय वतलीं ?

कांचन : कितलीं वतलीं ?

भाटकार : ही अुमळशीक लग्नाची काय गाडयेची ?

कांचन : वचूं हांव ? बस चुकत.

भाटकार (अुलो मारता.) अंता ऽऽ कांचनबायचें बॅग घेवन बसी कडेन चल. आनी तो किशोर तुका पावपाक येना ?

कांचन : हांवेंच नाका म्हळ्ळें ताका.

भाटकार : कित्याक ?

कांचन : पावपाक येता आनी बाबडो जावन वगी रावता.

भाटकार : मागीर ?

कांचन : मागीर म्हाका रडपाक येता.

भाटकार : तसलीं रडकी सवंगा बरीं करता तो.

कांचन : पापा, म्हज्या फाटल्यान अुलोवं नाका ताका आं.

भाटकार : चड पाखो घेवं नाका ताजो.

कांचन : बरें पापा, येतां हांव.

(अंता बॅग घेवन ताचे फाटोफाट वता. भाटकार पडवेर मेरेन वता आनी तें वचसर पळयत रावता पळयतां पळयतां कोणतरी येता तो ताचे नदरेक पडटा. तो अदमास घेता. ताका वळख पडटा. माणिकबाय येता. अेक आडसाठी बायल.)

भाटकार : यो.

माणिक : वळख अुल्ली हें खूब जालें.

भाटकार : वाटेर कोण मेळ्ळें ?

माणिक : नक्षत्र ! अितलें सुंदर चली भाटकारागेर सोडून आनीक कोणागेर जल्माक येवं येता ?

भाटकार : तुकां पळयलें ?

माणिक : तितलें पिशें हांव ? कूस मारुन वाटेवयल्या [illegible] कुशीक दडून रावलें. मुखार वतकच वाटेर आयलें.

भाटकार : बरें केलें. आतांचीं भुरगीं नाका आयकल्ल्या गजालींनी वगीच बापायविशीं आदर अुणो करून घेतात. त्या काळार हें सगळें त्या समाजाक मान्य आशिल्लें.

माणिक : आतां खंय कोणाचो काळ सल्लो ?

भाटकार : (कोमार येवन) तश्शें आसा मुगो ?

माणिक : कोणाचे पुण्यायेन ? ह्या भाग्यवंताचे म्हूय ?

भाटकार : आज सकाळीफुडें हांगाशीं पावलां वळयलीं ?

माणिक : चैत्री पंदरा दिसांचेर पावल्या. म्हटलें, कामांच्या गोंदळांत अुगडास अुल्लो जाल्यार अुल्लो.

भाटकार : म्हाजन मुगो आमी आमकां चैत्रेचो अुगडास कसो अुरचो ना ?

माणिक : पोरूं अुल्लो ना म्हण अंदू सांगपाक येवंचे लागलें. खरें सांगू ? तुमी येना जाल्यार चैत्रेचें चान्नें लेगीत भेळशेल्लें कशें दिसता. सगळे म्हाजन वावुरतात पुण तुमी तातूंत नासल्यार अुत्सवाचो कणोच नाशिल्लेभशेन दिसता. पालखेक कुचो लेगीत घालताना हात जड जातात. आनी तुमकां कशें सांगूं, पलंगावयल्यो जायो किस्मुरल्या बगर बावून वता.

भाटकार : येतलों, येतलों. अंदू हांव जरूर येतलों.

माणिक : चैत्रेआदींच म्हज्या घरांत चान्न्याचो शिवर जायत !

भाटकार : अंदू हांव चार दीस रावपाकूच येन.

माणिक : तुमची सेवा घडटा ताचे भांगर जायत.

भाटकार : आगो, आमी म्हाजनांनी अुत्सव निर्माण केले ते कोणां खातीर ? आं ? कोणाखातीर गो ? (दोळे मोडटा.) अंदूचे चैत्रेक तुकां खर्चाक रोकडेच धाडून दिवपाची वेवस्था करतां.

माणिक : देवाचे दयेन आनी तुमचे कृपेन पैशांखातीर केन्ना अडूंना. पुण तुमी आयलेबगर . . .

भाटकार : (विरगळ्ळा) येतलों गो. येतलों.

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY 1298

माणिक : बरें तर. येतां हांव.

भाटकार : चैत्रेक येतां. चैत्रेक येतां. वाट पळय. वाट पळय.
(माणिकबाय वता. भाटकार पळयत रावता. भायरसून अंता येता. भाटकार आपलेच तनरेंत आसा.)

अंता : भाटकार, लोक अुलयतात तें खरें ? (भाटकार काचाबूल जाता.) अेक दीस आमकां हांगचें वच्चें पडटलें ?

भाटकार : (भानार येवन) अंता, तो किशोर खंय आसा पळय. आज पाडपबी ना ताका ?

अंता : धाडटां आं.
(कांय वेळान किशोर माळयेवयल्यान सकयल येता. तरनाटो. सादो भेस.)

भाटकार : किशोर, अंदू चैत्रेक येतलो ?

किशोर : ना.

भाटकार : कित्याक ?

किशोर : तशें मनांत हाडल्यार कोणेंय कितल्योय चैत्र्यो घरांत लेगीत मनोवं येता.

भाटकार : (दुबावान) वर्सांतल्यान अेकदां देवाच्या पायांकडेन वच्चें. वाडवडीलांची चाल ती. मोडटें घालचें न्हय.

किशोर : हया विसाव्या शेंकड्यांत वाडवडीलांच्या सगळयाच चालीरीतींक पाळो दिल्यार नाक कट्टेंत बुडोवंचे पडटलें.

भाटकार : बापायमुखार अुलयताना थोडी भीड धरुन अुलोवप सदांच बरें. म्हज्याय बापायमुखार हांव मुर्वतीन वागतालों म्हण सांगतां. आतां ते चालीक तूं पाळो दिवंक सोदीना जाल्यार तुजी मर्जी.

किशोर : पापा, अशें प्रश्नूच तूं म्हाका कित्याक विचारता ? म्हज्यान मागीर अुलयलेबगर रावूं नजो जाता.

भाटकार : आज पाडूंक वचना ?

किशोर : ना. फाल्यां.

भाटकार : आज कित्याक ना ?

किशोर : देमू जलम्यालें अेकूच ठिकाण पाडपाचें अुल्लां. आज तागेल्या चल्याक पणजे इंटरव्यू आसलो. पाडपाकडेन ताच्या चल्याकूच वावुरचो पडटा. हांवेच म्हळें, आज नाका. फाल्यां पाडचें.

भाटकार : तूं कोणाचें कल्याण करपाक मुखार सल्ला रे ?

किशोर : पापा, दुसऱ्यांचें पाड घालोनासतनाय आपणाचें बरें करूं

येता.

भाटकार : गांधी जावंक सोदता ?

किशोर : येदद्या व्हडल्या महात्म्याचें नांव घेता आनी ताचे सेवेच्यो बकच्छायो कित्याक करता ?

भाटकार : आतां सगळी भाटां विकचीं आनी समाजसुधारणेचे आश्रम काडचे.

किशोर : भाटां विकचींच पडटलीं.

भाटकार : कसली वान्सा रे तुजी ? वाडवडीलांचो म्हालमतो तो. वाडोवपाचो हक आसा पुण विकपाचो अधिकार ना. (विशय बदलपाक सोदता) सकाळच्या पारा कसलीं अुलोवणीं चल्ल्यांत रे हीं घरांत ? (अुलो मारून) अंता ऽऽ अुदक काड म्हाका न्हावपाक. (किशोराक) कविता करता खंय तूं ? किते फाल्त आसा म्हण कविता करता ?

किशोर : पापा, कितें फाल्त आसा म्हण तूं दुडवांखातीर धडपडटा?

भाटकार : सुबेजपणां ! अुलयिल्ल्या अुतराक सुबेजपणां. धाकलो तूं. बाब म्हळो म्हण व्हडलो जालो ना. नमळायेन वागचें. म्हजेलागीं अुलयताना जीब सुट्टा आनी त्या भागेल्या-लागीं अुलयताना, कुळवाड्यांकडेन अुलयताना बाबडी गाय !

किशोर : भागेल्यांचेर मोटयान च्यांवार जाल्यार भाटकारपण सोबता ?

भाटकार : भाटकारान भाटकाराक फावसारकें अुलोवप.

किशोर : आनी भाटकारान मनशाक फावसारकें अुलयल्यार कसलें अुणेपण आसा ?

भाटकार : कितें अुणेपण आसा ! हांवूय आतां तुजेवरी कट्टें काडून कुळवाड्यांच्या चोम्यांन रिगतां. तुजेवरीं सगळ्यांकडेन आपुलकायेन अुलयतां. मोवाळपणान. (रागान अुलो मारता) अंता ऽऽ

अंता : भाटकारा,

भाटकार : (तिडून) अुदक काडूं ना आजून ?

अंता : व्हदळ काडलें भाटकारा.

भाटकार : (तिडून) मागीर सांगूंना आजून.

किशोर : पापा, तुकां शक्य ना तें. तुज्या रगतांतूच ना तें. (भाटकार दांतओंठ खायत भितर वता. फाटोफाट

अंताय वता. किशोर जनेलांतसून भायर पळयता. कांय वेळान भायरसून क्रुझ येता. विधानसभेंतलो विरोधी पक्षाचो आमदार. सूट-बूट असो भेस. माथ्यार हॅट. चाळीस पंचेचाळीस अतली पिराय. उलयताना मदीं मदीं पुर्तूगेज भाशेंतलीं उतरां भरसुपी.)

क्रुझ : हॅलो धाकलो भाटकार, बोंदीय. कसो आसा ?
(किशोराचो हात हातांत घेवन शॅकहॅंड करता. किशोर सुरवेक कांचवेल्ल्यावरी जाता. मागीर सांबाळटा.)
वळखलोना म्हाका ?

किशोर : तुमकां कोण वळखना ? विधानसभेंतले विरोधी पक्षाचे आमदार मिस्टर एस. व्ही. क्रुझ.

क्रुझ : सारकें. सारकें.

किशोर : सरकारी वावराचेर टिका करपी तुमचें अेक अेक पत्रक सदांच नित्यनेमान नेमाळयांनी आनी आकाशवाणीच्या प्रादेशीक खबरांत आसताच.

क्रुझ : सारकें. सारके. विरोधी पक्षाचें कामूच पत्रकां काडपाचें.

किशोर : फकत पत्रकां काडपाचें ?

क्रुझ : पत्रकां काडपाचें म्हळयार सरकाराच्या वावराचेर नदर दवरपाचें. ती दवरीना जाल्यार हांगां कितें चोवपाक मेळटलें आसलें तुमकां ? उदकाचे सुवातेर जमीन आनी जमनीचे सुवातेर उदीक दिसपाचें.

किशोर : हें काम सादें कशें दिसलें तुमकां ?

क्रुझ : (दुबावान) तूं आमच्या फावराद न्हय काय कितें रे ?

किशोर : शे, शे. तशें काय ना. फुडल्या अलेसांवाच्यान म्हाका मतदानाचो हक मेळटा.

क्रुझ : बेस बरें. आमकां विसरूं नाका.

किशोर : तुमकां मत दिलेंना जाल्यार लेगीत तुमकां विसरपाक जावचेंना

क्रुझ : अं.

किशोर : मिस्टर क्रुझ अेक विचारूं ?

क्रुझ : बरे भशेन.

किशोर : फाटल्या धा वर्सांत सरकारान जंय जंय हय म्हळां थंय थंय तुमी ना म्हळां.

क्रुझ : तें कामूच विरोधी पक्षाचें. आमी तें बेस बरें करतां.

किशोर : सरकारान जेन्ना अेखादे सुवातेर पूल जावंक जाय म्हळा

थंय तुमी तो पूल जावंचो न्हय अशें म्हळां. सरकारान तोच पूल जेन्ना जांवचो न्हय म्हळां तेन्ना तोच पूल जांवचो म्हण तुमी हट धल्ला.

ऋझ : हय. सारकें.

किशोर : म्हणजे तुमच्या विरोधाचो अर्थ कितें ?

ऋझ : आरे, धाकलो भाटकार, हेका म्हणटात पुलितीक. पुलितिकाक तूं म्हणटा तसलें चिंतप करून अुपकारना. तूं आमच्या पक्षान यो. मागीर तुका सगळें बेस बरें सजमोतलें.

किशोर : तुमचें असलें पुलितीक तुमकां लखलाब जांव !

ऋझ : तुकां पुलितीक लागना ?

किशोर : आजून हावें ताचेर विचार करुंक ना.

ऋझ : आतां तो करूंकूच जाय. तुजेसारके तन्नाटे पुलितिकांत आयल्यार हां सरकार अेके घटकेत कांयच न्हय करून सकला वडोवं येता.

किशोर : तुमची सगळी धडपड आसा ती सरकार सकला वडोवपाक. मागीर तुमचो सरकार येतकच विरोधी पक्षाची धडपड आसतली तुमचो सरकार वडोवपाची. हे तुमचे लटापटींत बाबडी गरीब जनता कुंडो कशी मस्तून वचची ना ?

ऋझ : तूं म्हणटा तें सगळेंच फटी भानूंक जावचें ना. देखूनूच तुजेसारके अुमेदवंत, नव्या रगताचे तन्नाटे आमकां आमच्या पक्षांत जाय.

किशोर : विचार करता हांव तुमचे सुचोवणेचो.

ऋझ : आतां तुमकां वगी बसपाक कशेंच मेळचें ना. तुमकां आनी तुमच्या सगळ्या गांवच्या लोकांक.

किशोर : कित्याक ?

ऋझ : तुमकां खबर ना ? ह्या तुमच्या गांवाचेर ह्या सरकारान व्हडलें संकश्ट हाडून सोडलां. तुमी वगी बसल्यार फस्तीक पडटले. सामके फस्तीक पडटले बुडटेले. धाकलो भाटकार, तुकां खबर ना तूं नेणार. तूं जाणां ? तूं हींगां आज अुबो आसा. आनीक पांच वर्सांनी हींगा हींगां सगळ्याक अुदीक जातलें. तूं अुबो आसा थंय तुज्या माथ्यावयर देड माड अुदीक चडटलें. देखून तुज्या पायक, तुमकां गांवकारांक, सगळ्यांक न्हीदेंतल्यान सडसडीत

अुठावन सगळो खरो फाक्त सांगपाक आयलां. तुमकां कांयच खबर ना.

किशोर : म्हाका सगळें खबर आसा.

क्रुझ : खबर आसा ? आनी तरी लेगीत तुमी तोंड धांपून वगी?

किशोर : गरजेभायर तोंडां अुगडपाची सवंय ना म्हण वगी.

क्रुझ : गरजेभायर कशें ? तोंड अुगडपाची, आवाज करपाची गरज तुमकांच.

किशोर : लोकांनी आवाज करपाचो आनी तापिल्ल्या तव्यार आपणाली भाकरी भाजून घेवपाचें राजकारण ह्या प्रदेशांत मुळाकसावन चलत आयलां.

क्रुझ : तसलें पुलितीक आमच्या पक्षांन केदींच करूंक ना. केलां तें सरकारी पक्षान.

किशोर : सरकारी पक्षाचें म्हणणें अशेंच. हांव खंयच्या पक्षाचो पाखो घेना. पुण अेकूच सांगपाक जाय तुमचो खेळ जाता पुण गरीबधाकटयांचो जीव वेता.

क्रुझ : गरीबधाकटयांचो जीव वेता ही सत् खबर आनी हेका कारण दुसरो तिसरो कोणूच न्हय, फकत सरकारी पक्ष. (किशोर फकत हांसता आनी भायर जनेलांत पळयत रावता.)
म्हजें सारके न्हय ? वगी कित्याक ?

किशोर : (भायर बोट दाखोवन) भायर पळयतालों.

क्रुझ : कोणांक ?

किशोर : सुण्यांक. ताका खंयूय मार बसल्यार तें फकत दाव्या पांयारुच कुट्टा.

क्रुझ : हय. हय. सुण्यांक वाश्ट सवंय आसता ती.
(किशोर हांसता.)
मागीर तुजें मत कितें ?

किशोर : कित्याचेर ?

क्रुझ : हे सगळें बुडटा तेचेर.

किशोर : मिस्टर क्रुझ नाण्यांक दोन बाजू आसतात. तुमकां दोनूय खबर आसा पुण दुर्दैवान तुमी अेकाच बाजूचेर विचार केला.

क्रुझ : तुजें सत् मानूंक जावंचेना.

किशोर : मानून घेवपाचेंच ना ह्या विचारान तुमी अुलयतात मागीर कशें जातलें ? शेत रोयताना बीं कितलें मातयेंत

पडटा हाचोच तुमी विचार करतात. बियांचे भात कितलें जातलें हाचो विचार करीनात. मि. क्रुज तुमी जे गजालीखातीर हांगां आयल्यात ताचो परत अेकदां बारीक साणेन आर्तो पर्तो विचार करात. लोकांच्या भावनांक हात घालून तांच्या कुस्तार आपणालें आसन थीर करपाचे हीण दर्जाचें राजकारण तुमचेकडसून जांवचेना म्हणपाची हांव आस्त धरतां. आनी तुमी तसो यत्न केलोच जाल्यार आमकां आमचीं भुजा वावडून तुमकां विरोध करपाक मुखार येवंचे लागतलें.

(क्रुझ अस्वस्थ जाता.)

तुमी आयल्यात म्हणपाचें पापाक सांगतां. (भितर वता.)

(क्रुझ जनेलांतल्यान भायर पळयता. कांय वेळान भाटकार ताका हटकीत येता. क्रुझ जनेलांतल्यान थीरतायेन पळयता.)

भाटकार : सियोर क्रुझ, दे पोरश् द् मुयतु तेंपु. अुगडास आयलो आमचो, गांवच्या मनशांचो ? भायर नदर लावन कितें पळयता ?

क्रुझ : चोयतां आनीक पांच वर्सांनी हींगां अुदीक कशें सोबतलें तें चोयतां.

भाटकार : रातीं तुमच्या मेंबरांची बरी पार्टीबी आसली काय कितें ? आजून निवळूंना ?

क्रुझ : सियोर सरदेसाय, हांव फकाणां करीना. तूं असो वगी देखून हांव सुमाराभायलो अजापलां.

भाटकार : मनींत धर, सरदेसाय वगी आसा हाचो अर्थ सगळें जागचें जाग्यार आसा. सरदेसाय खवदळ्ळो, खंय तरी कितें तरी जरूर जालां म्हण समजूचें.

क्रुझ : आनां तूं वगी हाचो अर्थ समजोना म्हाका.

भाटकार : पुण अितल्या आकांतान असो सकाळफुडेंच हांगा येवपाचें कारण कितें ?

क्रुझ : कारण तुमची न्हीद.

भाटकार : कितें ?

क्रुझ : सियोर सरदेसाय. तुमी न्हिदेंत भरमेल्यात. ही तूं अुबो आसा ती सुवात पांच वर्सांनी बुडटली. तेचो वावर सुरु जाला.

भाटकार : मतां मागतनाय लोकांलागीं तुमी अशे अुमाण्यांनी

अुलयतात मरे आनी तुमचें म्हणणें लोकांक केन्नाच समजूंक पावना. आनी मागीर तुमकां विरोधी पक्षांत बसचें पडटा.

क्रुझ : सियोर सरदेसाय, फकाणां करपाचो वगत न्हय हो· ह्या प्रदेशांतलो पयलो बांद, पयलो डॅम हींगा जाता. आनी तेखातीर ही तुगेली सगळी प्रोप्रिलदाद् - सगळीं भाटां, बेसां बुडून वतलीं.
(भाटकार ताका बसयता·)

भाटकार : सियोर क्रुझ, हे सगळे प्लान फकत कागदांचेरूच अुरपाचे.

क्रुझ : हें तशें न्हय सियोर सरदेसाय.

भाटकार : (ताका थांबोवन) हांव सांगतां तें आयक. हांगां डॅम बांदपाचो प्लान आदीं फिरंगी सरकारानूच तयार केल्लो. तांचे मुस्तींत जालें ना तें आतां जातलें म्हणटा ? (हांसता)

क्रुझ : ताचे मुखार तुकां खबर ना सियोर सरदेसाय. अिकुणिसशें साठ आनी चार वर्सां थावन दिल्लीचो केंद्र सरकार हाचेर इश्दूद करीत आसलो. अिकुणिसशें साठ आनी आठ वर्सां या बांदा संबंदीची खबर दिल्लीच्या पार्लेमेंटांत आयल्या· आनी त्याअुपरांत आतां तीन वर्सांनी हांगच्या लोकल गवर्नमेंटान ह्या बांदाच्या वावराक नेटान सुरवात केल्या.

भाटकार : वर्सावळ म्हाका सारखी खबर ना पुण हांव जाणां आसलों, असलें कितेंतरी चलता म्हण. मदीं सगळ्याची सर्वेबी घेतिल्ली.

क्रुझ : आनी तरी तूं वगी ?

भाटकार : म्हजे काळ्याचे धवे जाले ताच्या अणभवान तुकां सांगतां, हे असले प्लान केन्नाच फळादीक जावपाचे ना.

क्रुझ : सियोर सरदेसाय, अशी कुड्डेपणाची भास अुलोवप तुकां सोबना. तुज्यान कायदो केदींच बदलूंक जावपाचें ना.

भाटकार : (हांसता) कायदो ? हावें मनशांचीं नशीबां बदलल्यांत. खंयचे कायदे घेवन बसला ! हाचेआदीं ह्या सरकारान कितले कायदे केले. अेक सटवो खंड ह्या प्रदेशांतल्या सगळ्या भाटकारांक बादलो. सरदेसायाक बदलो ना. आनीकूय जमनीचे जायते कायदे येत· पुण ते म्हाका बादपाक ना· कायदो म्हज्या बेसांत भितर सरपाक

काचवेता मि. क्रुज.

क्रुझ : सियोर सरदेसाय. तुजें बळ आनी शक्त हांव जाणां. तुज्या बळारूच तर आमच्या पक्षाची व्हडवीक आदारून आसा. पुण सरदेसाय, हेर दुसऱ्या प्रश्नांसारको हो प्रश्न न्हय. हांगा तुज्या हातीन जबरशें कांय ना.

भाटकार : मूठ अुक्ती करचेआदीं तूं सांगता. मूठ अुक्ती करतकूच कळूंक पावतलें.

क्रुझ : खऱ्यानी ताचीच गरज आसा. तूं वगी रावल्यार जल्माचो फटवतलो.

भाटकार : सियोर, हो बांद जातलो ही कल्पना तूं तकलेंतली काडून वडय. आरे, हाचेआदीं ह्या सरकारान थोड्यो येवजण्यो केल्ल्यो ? कितल्यो जावपाक पावल्या ?

क्रुझ : ही येवजण जाता ही सत् खबर. हांगां इरीगेशन डिपार्टमेंट वाडटा. वांदाचे सुवातेकडेन अधिकारी, कामदार हांचेखातीर रावपाची सुवात जाता. सियोर सरदेसाय, तूं अितलो लागीं आसून तुकां हें खबर ना म्हळ्यार खरेंच अजाप म्हणपाचें.

भाटकार : हालीं तेवटेन पावूं ना हांव हें खरें.

क्रुझ : तूं थंय पावंक ना म्हण थंय जावपाचें आसा तें घडलेबगर रावपाचें ना. ह्या प्रदेशांतलो सगळ्यांत व्हडलो असो हो प्रोजेक्त जावन आसा. ह्या सरकाराक तो फकत आपणाली इमेज व्हड करपाखातीर जाय. न्हय कोणाच्या फायद्याक. जाणां सियोर सरदेसाय, ह्या बांदाक लागून णव गांवाचे आठ वाडे बुडटात. सुमार तिनशीं फामिलीची घरां ना जातलीं. सुमार साडेपांच हजार लोकांक हो बांद बादिकाराक पडटलो कांय जाणांची शेतां भाटां बुडटलीं पुण घरां अुरतलीं. कांय जाणाचीं शेता भांटां बुडटलीं. स हजार अेक्तार भूंय अुदका खाला वतली. तातूंत भाटा-बेसां, घरां-दारां देवळां, इगर्जी, मशीदी, हॉटेलां, ऑफीसां, ग्रामपंचायती सगळ्याचेर अुदीक पडटलें. आनी सरदेसाय हातूंत चडानचड मार बसतलो तो तुका. तुजी सगळ्याची सगळी प्रोप्रिलदाद खलास ! तुज्या भागेल्यांक पीडापीड भोगतली. सियोर सरदेसाय, खंयच्याय मनशापरस चडानचड लुकसाण जातलें तें तुजें, सियोर सरदेसाय फकत तुजें.

भाटकार : तशें जाल्यार हो बांद केन्नाच जावपाक फावना.
क्रुझ : केन्नाच ना.
भाटकार : हांव जिवाच्या आकांतान ह्या बांदाक विरोध करतलों.
क्रुझ : आमच्या पक्षाक तेंच जाय.
भाटकार : आज सरदेसाय खवदळ्ळो. आतां कोणाकूच वगी बसपाक मेळचेंना.
क्रुझ : आतां सरकाराची न्हीद चाळवल्याबगर रावची ना.
भाटकार : हे सरकारचे येवजणेआड हांव सगळ्या बळग्यानिशीं झुजतलों.
क्रुझ : जैत आमचेंच जातलें हातूंत मात्तूय दुबाव ना.
भाटकार : सरदेसायाक अपेसाची संवंय ना.
क्रुझ : आमच्या विरोधाची कार्यावळ आयच्यानूच सुरु जावंक जाय
भाटकार : सरदेसाय कदेली वयलो अुठलो तेन्नाच ती सुरवात जाली सियोर क्रुझ. आतां मुखार ?
क्रुझ : सगळयांत पयली गजाल. ह्या वाठारांतल्यान बांदाक खडेगांठ विरोध जावंक जाय. जांकां दुखता ताणी पयलीं 'हाय' म्हणटकूच मागीर हेर भागांतल्यान तुमच्या विरोधाक सपोर्ट तयार करपाचें काम आमच्या पक्षाचें. तें आमी बेस बरें करतले. हे कार्यावळींत मोर्चा, अुपोशणां, सत्याग्रह, घेराव ह्या सगळ्या लोकशाही अुपायांचो वापर करून लोकल गवर्नमेंट आनी सेंट्रल गवर्नमेंट हाच्यो कदेली हालोवन वडोवपाक जाय, जातून हें सरकार हूबूत समिदराभायर पडटलें.
भाटकार : तुगेले कल्पनेपरस भयांकृत घडटलें.
क्रुझ : तशेंच घडोंक जाय. तुवें सगळ्या गांवकारांक मुसांचें मालें कशें उठोवन घालूंक जाय. तुज्यान तें करू येता.
भाटकार : सरदेसायाच्यान करूं नजो जाल्यार आनी कोणाच्यान करूं येता ? आत्तां हे घटकेक पळयशीत तूं. मुसांचें मालें न्हय जिसावल्ले कोलसुणे कशे सगळ्यांक चाळोवन सोडटां. अंता ऽऽ अंता ऽऽ
(अंता धांवत येता.)
भाटकार : फाटल्या भाटांत लोक वावराक आयले ?
अंता : थोडे येयल्या, थोडे येतात.
भाटकार : वावराचीं सगळीं कामेऱ्यां आयल्यांत ?

अंता : हय. सगळीं येयलीं.

भाटकार : सगळ्या कामेऱ्यांक आनी मानार्यांक धाड.

अंता : गांवांत ?

भाटकार : सारकें आयकून घे. शेतां-भाटांत, घरा-दारांत आशिल्ल्या दर अेकल्या मनशाक सांगात म्हणजे सरदेसाय भाटकारान ज्या ज्या अुर्जेंत सगळ्यांक आसा तशे आपणांगेर आपयल्या.

क्रुझ : सियोर सरदेसाय, तूं आतांच मिटींग घेवंक सोदता ? हो वगत मिटींगेचो न्हय. हो वगत लोकांच्या वावराचो. लोक मिटींगेक येवपाक कुस्तार जातले.

भाटकार : सियोर क्रुझ, ही तुज्या पक्षान आपयिल्ली मिटींग न्हय. देसायान मारिल्लो अुलो केन्नाच फुकट वचूं ना. आनी सरदेसाय नस्त्या कामाखातीर अुलो मारीना म्हण सगळे बेसबरे जाणां. हो मिटींगेचो वगत न्हय ? मनांत आयल्यार हांव आयचे घटकेक खळ्यांत शिगमो खेळोवंक आसा. हो भौस कोणाचे पुण्यायेन जियेता म्हण समजला तूं ? खाल्ल्या गोट्याक हे लोक पडमूर केन्नाच जावचेना. आनी अशीं पडमुरपणां केल्यार ज्या अन्नान हांची फाट दाट जाल्या त्या फाटीच्यो साल्त्यो सरदेसाय दॆंवयलेबगर रावचोना म्हणपाची दर अेकल्याक खात्री आसा. तसो सगळ्यांनी कानाक पिवळ घालून घेतला.

क्रुझ : सियोर सरदेसाय, भायल्या प्रदेशांत समाजीक मळार कसले आकांताचे बदल घडयल्यात. पुण तुजे सुवातेक कसलोच धोको लागूंना तें पळोवन दोळे वरशे जातात.

भाटकार : धोको कित्याक बादतलो ? आजून मेरेन आमचें मनगट बागोवपी कोण जालोच ना.

क्रुझ : अुज्यालागीं खेळ कोण करीत ?
(जनेलाकडेन बोवाळ)

भाटकार : पळय, पळय. भायर पळय म्हजी आज्ञा संदेश जावन कशी या सगळ्या वाठाराच्या शिरंतरांत घुमता ती पळय. (क्रुझ भायर पळयता. लोक अेकामेकाक कुंकारी घालतात अेकामेकाक अुलो मारतात.)

लोक : भाटकारान आपयल्यात.
– काम बंद करात.
– बेगीन.

– कळाव नाका.

– भाटकार रावता.

(ऋझ भुजां वावडून अजाप प्रगटायता. भाटकार खोशयेन हांसता.)

भाटकार : आतां पळयशीत तूं. खळचांत रिगपाक मूय-मुसाक सुवात मेळचीना. म्हजें अुतर कानार पडलें तें काळजान कोरांथून अुल्लें म्हण समजुपाचें.

अंता : (येता) भाटकार बायलांक खंय बसपाक सांगपाचें ?

भाटकार : म्हजे मांडयेर बसपाची गरज ना. खळचाचे अेके वटेन बायलांक आनी दुसरेवटेन दादल्यांक अुबे रावात म्हणजे. (अंता वता.)

ऋझ : तुज्या आंगणांतूच मिटींग ?

भाटकार : म्हज्या लोकांक हांव म्हजें आंगण सोडून दुसरे सुवातेर कित्याक आपयतलों ? तूं नकळो सियोर ऋझ, गोठचांत सांगिल्लीं अुतरां गोरवांच्या रोकडीं मनांत रिगतात.

ऋझ : कापाज राखण्याचें काम करता तूं.

भाटकार : आनी तेंवूय चडशी बडी अुजार करीनासतना.

ऋझ : तकली फीन आसताना बडयेची कसली गरज ?

भाटकार : गरज लागता बडी नासताना बडयेचो धाक तरी निर्माण करचोच पडटा. जिबेच्या तोंकावयल्यान भायर सरपी उतरां तिख्याचे बाण करचीं पडटा.

(भायर बोवाळ)

भाटकार : चल, यो पडवेर.

ऋझ : हांवे कितें करप ?

भाटकार : तुवें कांयच करपाची गरज ना. विधानसभेंत बसता तसो वग्गी बसून रावप.

(दोगूय पडवेर वतात. थंयच दोन कदेली आसात. भाटकार अेके कदेलीर ऋझाक बसयता आनी आपुण अुबो रावता. अंता येता.)

भाटकार : सगळे आयले ?

अंता : भागेली भौतेक सगळे येयले. चोम्यांचोम्यांनी लोक येत आसात.

भाटकार : कोण येवं ना तांची नांवां मतींत धर.

(अंता वता. भायर बोवाळ. भाटकार अुलोवपाक अुबो आसा. लोकांवशीन पळोवन हात अुबारता. लोक वग्गी.

शांतताय.)

भाटकार : श्री सोमेश्वराचे कृपेन या थळांत सुखासमाधानान नंदपी म्हज्या गांवभावानो, आज वेळाकाळाचें भान दवरी-नासताना जो हावें तुमकां अुलो माल्ला तो तशेंच आकांताचे परिस्थितीक लागून. आज या खिणांक जर आमी अशे दोळे धांपून वगी रावले जाल्यार जल्माचे फसतले. मागीर वेळ वतकच कपलार हात मारून घेवन कपल जरी फोडलें तरी कांयच अुपेग जावपाचो ना. हांव तुमकां चड बुचकळचांत वडयना. कसलें अरीश्ट तें सांगतां. ह्या प्रदेशाच्या सरकारान आमचें निसंतान करपाची अेक अेवजण आंखल्या. भौजन समाजाचे सेवेचें रूपडें घातिल्लो हो सरकार या वाठारांत हांगचे न्हंयेक सकयल्या दोन दोंगराच्यामदें अेक बांद बांदपाक सोदता. (लोकांचो बोवाळ)

लोक : बांद !

– हायें सांगों नासलें !

– हायें आयकलेलें !

– फटूच दिसतालें.

– भाटकार फट सांगता ?

भाटकार : हांव जाणां, तुमकां ताची खबर आसतली. म्हाकाय आशिल्ली पुण हो सरकार आमकां असो बुडयत म्हण खबर नाशिल्लें. तुमी जाणां, हो बांद बांदतकच कितें जातलें तें ? सोमेश्वराचे पुण्यायेन बाराय म्हयने पांचवो-चार अुरपी हो वांठार अुदकाखाला बुडून वतलो. आमकां साटली पोटली माथ्यार मारून देशोधडीक लागचें पडटलें. मागीर कोणाच्या दारांत पेजे निवळ मागपाक वतले ? भाटकार-भागेली सगळयांचेर अुदक पडटलें. तुमच्या वाडवडिलांचीं घरां, देवाची सासाय आशिल्लो पाग्याचो गोठो, गोरवां वासरां सगळीं अुबांतरा पडटलीं· चिखलांत मूठ माल्ल्यार अुदक कसो विरगळून वता अशा कमाशेच्या चिखलाचीं शेता खंय सोदपाक वतले ? कळशायेदे नाल्ल तुमकां दुसऱ्या खंयच्या तेरीक मेळटले ? आंब्याचें घोंट चोखपाक मेळचें ना. काजुबियो, अनसा धोडो सगळयाक पातीशेर जातले. सगळयांक पावपी त्या सोमेश्वराची चैत्री खंय मनयतले ? कशी ?

लोक : (बोवाळ)
– आमकां हो बांद नाका.
– आमचें निसंतान जातलें.
– आमकां हो बांद नाका.

भाटकार : हो बांद कोणाकूच नाका. विरोधी पक्षाचे आमदार मि. क्रुझ तांकांय तो बांद जाल्लो नाका. मागीर तो जाय कोणाक? जाय फकत सरकाराक? कित्याक? भौजन समाजाच्या बऱ्याक? केन्नाच न्हय. जाय फकत आपणाल्या ऑर्राक. आपणे येदो व्हडलो बांद बांदलो म्हण नेटान सगळ्याक सांगपाक. सरकार हे करूंक सोदता कोणाच्या खुस्तार? आमच्या. कित्याक? आमी गवणींतलीं गोरवां. आमच्यानी विरोध करुं नजो. आमी खेड्यांतलीं मनशां. सोंशीक. ह्या सरकाराक आमचें लुकसाण करपाचो कसलोच अधिकार ना. आमी आमच्या कश्टाचें हांगां जोडून खाता. सरकार आमकां पोशीना. आमकां बुडोवपाचो सरकाराक कसलोच अधिकार ना.

लोक : अधिकार ना.
– अधिकार ना.

भाटकार : आनी त्याखातीर आमी या बांदाक विरोध करुंक जाय. तरातरांच्या अुपायांनी विरोध करूंक जाय. आमच्यो सात पिळग्यो जे भूंयेर नंदल्यो ती भूंय आमी केन्नाच सोडचेना. सरकारालागीं झुजताना आमी काबार जाल्यार अुपकारता पुण ही भूंय आमी कशेच तरेन बुडोवपाक दिवंचे ना. आजपासून अेकूच विचार अेकूच घोशणा. आमकां बांद नाका.

लोक : आमकां बांद नाका. (बोवाळ)
(भाटकाराक अुलयताना धांप लागता. मातशी खांक येता. अितल्यान किशोर भायर येता. क्रुझ कांचवेता.)

भाटकार : (किशोरा म्हऱ्यांत येवन) यो किशोर, हो वगत आमचे परीक्षेचो आसा. ह्या लोकांक व्हरता तशे हे लोक वतले. हे संदीचो लाव घेवंक जाय नाजाल्यार आमी सासणाचे बुडटले.

किशोर : पापा, म्हाका तुजें म्हणणे मान्य ना.

भाटकार : तुकां म्हजेलागीं कसले वाद घालपाचे आसा ते मागीर घाल. आदीं त्या लोकांक चडानचड समजावपाचो यत्न

कर.

किशोर : हांव तुमच्या मताचो न्हय.

भाटकार : सांगलें न्हय. हो वगत आमचे परीक्षेचो आसा. आमचे मदले संघर्श कुशीक दवरुन आमी खांदाक खांदो लावन, ह्या खिणाक अुबे रावंक जाय.

किशोर : पापा, तें म्हजेकडसून जावचेंना.

भाटकार : कशें जावचेंना तें हांव पळयतां. पयलो पडवेर वचून अुबो राव. अुतरां आपशींच फुटटलीं. फकत बापायकूच शाणेपणा सांगता? आतां लोकांक सांग. काय बरी संद आयल्या दारांत चलून. हांव मातशी खरस निवळायतां.

किशोर : (निश्चेवान) हय. बरी संद आयल्या.

(किशोर पडवेर येता. लोकांक शांत करता. शांतताय.)

किशोर : सदांच दुसऱ्यांच्या पोशांत अुदक पिवपी म्हज्या गांवभावांनो, तुमी तुमचे तकलेन केन्नाच विचार केलो ना. जिवितांत तुमी परधिगेच अुल्ले. आज मातसो तुमचे तकलेन विचार करात. हांगा बांद जाता ही सत् खबर. बांदापासून तुमचें थोडेंभोव लुकसाण अवश्य जायत पुण निसंनाल न्हय. दर अेके गजालीक दोन बाजू आसतात. आमी काळखाक भितना अुजवाडाक विसरून कशें जायत? ह्या प्रदेशांतलो व्हडांतलो व्हड बांद हांगा जाता. आमकां घरांदारां, शेतां-भाटां सोडून वचचें पडटलें. पुण देशोधडीक लागिल्ल्या भिकाऱ्याचे अवतिकायेन न्हय. जो सरकार आमचीं शेतां भाटां बुडयतलो ताचें मोल आमकां फारीक करतलो. आची घरां मोडटा तांकां दुसरे सुवातेर घरां बांदपाक पैशे मेळटले. जमीन वगडायिल्ल्यांक कसपाक भूंय मेळटली. अुद्देगधंदयांक आदार मेळटलो. आपल्या घामांकश्टांनी वसयिल्ल्या ह्या पांचव्याचार संवसाराचेर अुदक सोडपाचे कल्पनेन तुमचीं अंतस्कर्णा दुखावल्यांत म्हणपाची जाणवीक म्हाका आसा. हांवूय हेच भुंयेचो पूत. हे भुंयेच्या पुताचेर अेक व्हडलो सुमारा-भायलो त्याग करपाचो प्रसंग आयला आमी कितें करतले हो प्रश्न आसा. फकत आपसुवार्थी विचार करून विरोध करतले? आमकां तें सोबत? भुकेल्ल्याक घांस आनी तानेल्ल्याक अुदक दिवपाची आमची संस्कृताय. आमी बांदाक विरोध करतले? तुमी जाणा? हो बांद सरकार

कित्याक बांदता ? आमकां मुद्दाम पिडापिड भोगोवपाक? ऑरें मिरोवपाक ? न्हय. अशें म्हणप सारखें न्हय. ह्या बांदापासून जे लाब या प्रदेशाक मेळटले ते हांगच्या लुकसाणापरस कितलेशेंच पटीन चड आसतले. हो बांद बांदून जें अुदक सांठवतलें तें अुदक खळी काडून पडींग सुवातांनी व्हरतले. जे सुवातेर वर्सांची वर्सां तणाची आशी झळकना आसली, ते सडे पांचव्याचार शेतांनी भरतले. दोन दोन मनीस अुंचायेच्या अुशीकाण्यांचीं अुशेलां ह्या सांठयिल्ल्या अुदकापासून जातलीं. पांच वर्सांनी ह्या प्रदेशाचो दक्षिणेकडलो वांठार वळखूंक येवंचो ना अितलो समृद्ध जातलो. हें सगळें आमच्या त्यागाखातीर जावंक पावतलें. केन्ना जोडलें ना अितलें ऑरें आमकां ह्या त्यागाखातीर मेळटलें आमच्या त्यागातल्यान जर कोणाल्या बुडकुल्यांत पेजेनिवळ शिजूंक पावता जायत जाल्यार आमी विरोध करतले ? सरकार आमची पुनरवसणूक करताना आमकां जंय भूंय दितलो ती भूंय आमी परत घाम गाळून हांगचे अितकीच पिकाळ करूंया. आमचीं देवदेवतां विधीपूर्वक थंय व्हरुंया आनी थंय अेक आदर्श असो नवो गांव वसोवंया. सांगात– आमी बांदाक विरोध करतले ?

(लोक वग्गी. भाटकार अितलो वगत रागान सगळें सोसून आयकता आनी आतां किशोराच्या आंगार धांवून वता आनी ताका भरभरीत ओडीत पडवेवयल्यान सकल हाडटा.)

भाटकार : किशोर ! कसलो सांवार आयला तुजेर ?

ऋुझ : सियोर सरदेसाय. तुज्या घरांत हांव हो व्हडलो इंसुल्त सजमतां.

किशोर : कित्याक तुमचेवरी हांव सत्याक असत्याचो लेप दीना म्हूण ?

ऋुझ : सियोर सरदेसाय, तुज्या घरांत खंयचें सत्, खंयचें असत् हें सोदून काडप म्हाका कुस्तार जातलें.

भाटकार : किशोर, तूं अशें लोकांमुखार अुलयलोच कसो ?

किशोर : हावें तुमका आदीच सांगिल्लें हाव तुमच्या मताचो न्हय.

भाटकार : पुण तूं म्हज्या रगताचो हें हांव कसो विसरूं ?

किशोर : तुमचें नश्टें दायज चलोवपाक हांव बांदलेलो ना.

भाटकार : किशोर !

किशोर : ताणशेंव नाका वगीच.

भाटकार : हांव आजून पासियेंस काडटां. वेळ वचूना. पडवेर वचून लोकांक सांग, आपणें आतां सांगलां तितलेंय फट.

किशोर : तें काम तुमचें. लोकांमुखार फटीचें चित्र तुमी उबें केलां. हावें न्हय.

भाटकार : मागीर लोकांनी तुज्या म्हणण्याक हयकार कित्याक दिलो ना ?

किशोर : तुजें म्हणणे न्हयकारुन म्हज्या म्हणण्याक हयकार दिवप म्हळ्यार आपणाक कितलें म्हारग पडटलें तें दर ऐकलो जाणा.

भाटकार : मागीर तू कोणाच्या नांवार बांद बांदपाच्यो गजाली करता ?

किशोर : त्याच लोकांच्या नांवार. तुज्या धाकान वगी रावले तरी निमाणें ते म्हज्याच म्हणण्याक पाळो दितले.

भाटकार : आज सरदेसायाच्या घराचे वांशेच घुंवले. तूं हे सगळें कित्याखातीर करूंक मुखार सल्ला ? ह्या तुज्या पाडच्या कर्तुबान कोणांचें बरें जावंक पावचें ना. कोण सुखाक पावचे नात.

किशोर : पावतले.

भाटकार : कोण ?

किशोर : वर्सांची वर्सां जे तुज्या शेकातळा चिडुले. तुज्या भाटकार पणाच्या ओज्यान जांचे फाटीचे कणे मोडले. तुज्या धाकधपाटच्यान जांचीं सपना हुलपलीं त्या त्या सगळ्यांक ह्या बांदाखातीर तुज्या धनीपणातल्यान मेकळीक मेळटली. मुक्तताय !

(भाटकार रागान किशोराचेर थापट मारता)

भाटकार : कपनखायऱ्या, दळदिऱ्या.

(काळोख - पड्डो पडटा)

आंक : दुसरो

(पयल्या अंकाउपरांत सुमार म्हयन्याचो काळ लोटला. माचयेचे रचणुकेंत कसलो बदल ना. कांय वेळान भायरसून कांचन आनी प्रताप येतात.)

कांचन : भाई, कितल्या वर्सांनी पावला रे तूं घराक ?

प्रताप : तीन वर्सांनी. पापा ना दिसता घरांत.

कांचन : चड करून नासतलोच. ह्या वेळार भायरूच आसता तो. भाई, असो कसो रे तूं ? तुमकां दोतोरांक भावनाबी म्हणटा त्यो ना काय कितें ?

प्रताप : कित्याक ? आमकां फातरा काळजाचे म्हण समजलें तूं ?

कांचन : मागीर अितलो तेंप मेरेन तुकां घरा येन कशें दिसनासलें ?

प्रताप : दिसतालें खूब ! पुण दिसप आनी घडप हातूंत खूब अंतर आसता. लग्न जावन पयस वतकच कळटलें तुकां.
(कांचन गंभीर जाता.)

प्रताप : कितें जालें ? अकस्मात तुजें तोंडशें देंवलें ?

कांचन : भाई, तुवें लग्नाचो विशय काडलो.

प्रताप : काडपाचो न्हय ? तुज्या भावाक तितलोय अधिकार ना?

कांचन : तशें न्हय प्रतापभाई. लग्नाचो विचार मनांत येतकच मन सैरभैर जाता.

प्रताप : ही भुल्लुसणी ! ती जावपाचीच.

कांचन : न्हय रे भाई, तुकां कशें समजांव ? व्हडल तुकां बसींत येतना ' कितें सांगपाचें आसा ' म्हणूं नासलें ? ती हीच गजाल.

प्रताप : अशें ! पळय कांचन, चलयेचें लग्न जेन्ना आवय बापायक थारावपाचें आसता तेन्ना चली वगीच आसता.
कांचन : तशें न्हय.
प्रताप : (मस्करी करीत) समजलें गो म्हाका. तुजो भाव जालो म्हूण तितलो हांव बुद्धु न्हय.
कांचन : भाई, मस्कऱ्यो नाका रे.
प्रताप : आतां तू लग्नाच्यो गजाली अुलयता. फाल्यां लग्न जातकच मस्कऱ्यो कोणाच्यो मारतलों ?
कांचन : मस्कऱ्यांक तुका वेळ मेळटा खंय ?
प्रताप : म्हजें सोड. मुद्द्याचें अुलोंवया. पापा येतकच मागीर दुसरो विशय सुरू जातलो.
कांचन : बांदाचो न्हय ?
प्रताप : हय. तर तुवें तुजो सांगाती वेंचून काडला, हें घरांत सांगपाक तूं कांचवेता.
कांचन : घरांत म्हणजे –
प्रताप : पापाक. हांगा घराचो अर्थूच पापा. पुण म्हाका अेक सांग, पापान तुकां सोयरीक पळयल्या ?
कांचन : आजून तरी ना.
प्रताप : अेक बरें जालें ना ? पापाचे त्रास वांचले. म्हणटकूच हातूंत कांजवेवपाची कुस्कूट गरज ना. पापाक सांगपाचें.
कांचन : कोणें ?
प्रताप : जाणें मोग केला ताणें.
कांचन : तेच्रखातीर तर भिरांत दिसता.
प्रताप : म्हणजे भिरांत दिसपासारकें प्रकरण आसा ?
कांचन : हय.
प्रताप : कितें करता चलो ?
कांचन : पणजेंत सेंटराक तांचें दुकान आसा. तसो पैशेकार न्हय. फामील बरी.
प्रताप : चलो कसो ?
कांचन : (लजता)
प्रताप : मुख्य तें न्हय ? परिस्थिती मागीर.
कांचन : अडटा तें .... ?
प्रताप : कोणाचें अडटा ?
कांचन : आमचे दोगांयचे बाबतींत प्रश्न ना. प्रश्न आसा तो –
प्रताप : (मदेंच) कसलें दुकान म्हळ्ळें ?

कांचन : (तकली बागोवन) चप्पलांचें.
प्रताप : म्हण्टकूच चल्याची जातूयबी ?
कांचन : (शरमेन) हय, तीच.
प्रताप : कांचन, हे लग्न जमप शक्य ना.
कांचन : प्रतापभाई, म्हाका दिशिल्लें, तूं तरी म्हाका विरोध करचो ना. खात्री नाशिल्ली ती मात पापाची. आतां तुवूय विरोध करता. हांव आतां कोणाच्या आदारार फुडलीं पावलां उबारूं!
प्रताप : ह्याच ह्याचखातीर म्हजो तुमच्या लग्नाक विरोध आसा. कांचन, तुवें मोग केला जायत. मनापासून केला जायत. त्या चल्याचोय तुजेर मोग आसत –
कांचन : खूब खूब आसा प्रतापभाई.
प्रताप : पुण लग्न जावपाचें बळ तुज्यान ना. विरोध सोंसपाची ताकद तुज्यान ना. देखून म्हजें स्पश्ट मत. तुवें ताचेलागी लग्न जावंचें न्हय.
कांचन : प्रतापभाई, तशें जाल्यार हांव जिवें उरचें ना.
प्रताप : तुज्या सारक्या चलयांची अशीच शोकांतिका जाता. आवय-बापायचो मोग जाय, तांच्या धाकान चलूंक जाय, घराण्याचे मान मरातब सांबाळूंक जाय. अशे तरेचे बंदपास आपणा भोंवतणयां आंवळून घेवपी चलयांनी हांतरूण पळोवनूच पांय सोडूंक जाय.
कांचन : म्हजो गुन्यांव जालो ?
प्रताप : मोग करप गुन्यांव न्हय. पुण तो मोग मागता तें न दिवप म्हळचार गुन्यांव. जातीकातीचें अंतर मानता तो मोगूच न्हय.
कांचन : प्रतापभाई, हांव मानिना.
प्रताप : तूं मानिना जाल्यार चल्याची जात सांगताना तकली कित्याक बागवली ? कांचन, तुजो मोग सारको काळजाचे साणीर घांसून पळय आनी मागीरच फुडलीं पावलां उबार.
कांचन : जातीचो स्पर्शूय जालो ना आमच्या मोगाक. पुण जेन्ना जेन्ना लग्नाचो उगडास येता तेन्ना तेन्ना ....
प्रताप : पापाचें चित्र दोळ्यामुखार उबें रावता.
कांचन : हय.
प्रताप : मागीर ही गजाल तुवें पापाक सांगूंकूच जाय. पापान

संमती दिली जाल्यार ताज्या सारको भाग्याचो खीण दुसरो ना अशें समजुंचें. नाजाल्यार तुकां दोनांभितल्लें अेक कितें तरीं आपणावचें पडटलें.

कांचन : पापाक ह्यावेंच सांगप ?

प्रताप : तुजी अित्सा म्हाका कळटा. हांव पापाक सांगनूय. पुण तुवें सांगप चड गरजेचें आसा जिणेत हें धाडस केलें ना जाल्यार तूं दुबळें थरतलें. म्हजी भयण दुबळी जाल्ली म्हाका नाका. तुवें खंयूय नंदचें पुण स्वाभिमानान नंदचें.

कांचन : प्रतापभाई, तुज्या अुतरानी म्हज्या आंगार मुठभर मास चडलें. हांव म्हजें मन निबर करपाचो यत्न करतां.

प्रताप : किशोराचो तुकां आदार मेळपाक हरकत ना.

कांचन : किशोर म्हजें मन केन्नाच दुखोवचोना. पुण म्हजेखातीर पापान सदांच किशोराक दुशणां दिवंचीं न्हय म्हुण हांव ताका भरीक घालीना.

प्रताप : तशी बरी समजिकाय आसा मुगो तुकां. त्या चल्यानूच शिकयल्या काय कितें ? नांव कितें ?

कांचन : विश्वनाथ कॉलेजींत आसताना आमची वळख जाली.

प्रताप : पुरो. मुखार मागीर सगळी हिंदी फिल्माची स्टोरी जोडपाची.

कांचन : तसो अुखलापो मोग न्हय आमचो.

प्रताप : चड जोडटा ?

कांचन : सुमाराचें.

प्रताप : म्हणजे पापाकडसून कांय मेळलेंना जाल्यार तुमचें भागत ?

कांचन : बरेभशेन हांवूय नोकरी करतलें. खरें सांगतां भाई, पापाच्या कसल्याच दुडवांचेर आमी दोगांयनी केन्नाच नदर दवल्ली ना.

प्रताप : तशें जाल्यार आतां सांगपाक हरकत ना.

कांचन : कितें ?

प्रताप : हो बांद हांगा जातकच आमची सगळी प्रोपर्टी बुडटली. सरकार प्रोपर्टीचे पैशे भाटकारांक फारीक करतलो. आमचे इस्टेटीचे पैशे पापाक, म्हाका, किशोराक आनी तुकां वांटून वतले काल हांव थंय ऑफिसांत चवकशी करून आयलां. तुज्या नांवार अेक लाख रूपया आसात.

कांचन : (भुल्लसून) खऱ्यांनीच ? (येवजणेंत पडून) पुण हांगा बांद जातलोच ? हें सगळें बुडटलें ? हांगा अशें भोंवपाक,

परत येवपाक मेळचें ना ? सगळें सगळें नदरे पैलाड जातलें ?

प्रताप : तूं अितलें कित्याक चुरचुरता ? तूं जेन्ना त्या चल्याकडेन लग्न जातलें तेन्नाच तुका हें सगळें नदरे पैलाड जातलें.

कांचन : ह्य. तेंवूय खरेंच. पापा म्हाका हांगा पांय लेगीत दवरपाक दिंवचोना. पुण किशोराक कितलें वायट दिसतलें. ताणे हांगच्या सैमाचेर कितलो जीव तोडून मोग केला.

(किशोर भितरसून येता.)

किशोर : आरे, प्रतापभाई आनी कांचन. तुमी दोगांय कशीं ?

प्रताप : हांव मुंबयसावन कालूच पावलां. कॉलेजींत वचून कांचनाची भेट घेतली. म्हज्यावांगडा येवपाक तें भायर सल्लें. तसोच घेवन आयलों.

किशोर : वा ! कॉलेजबी सोडून तुजेवांगडा आयलें ? हावें हांगा अेक दीस रावपाक आग्रो केल्यार व्हडल्यो शिक्षणाच्यो बडायो मारता !

कांचन : प्रतापभाई बरो तीन वर्सानी आयला. दोन दीस कॉलेज चुकल्यार कांय जायना.

किशोर : आनी कॉलेजींतले पराक्रम घातले प्रतापभाईच्या कानार ?

प्रताप : म्हणजे तुकांय खबर आसा तर ?

किशोर : म्हाका लिपोवन खंय वतलें ? ताका पत्रां बरयताना म्हज्योच कविता वापरतालें.

कांचन : पुण तुज्या कवितांचो कांय अुपेग जावं ना आं.

किशोर : आतां फी फारीक करपाच्या वेळार सांगतलेंच.

प्रताप : आरे, अितलो तेंप हांव समजल्लों फकत दोतोरूच फी घेता. तूं कवितेचीय फी सोदपाक लागलो.

किशोर : पुण घरांत आमी कन्सेशन दितां.

प्रताप : म्हजेलागीं जावपाचें ना रे बाबा.

किशोर : पळय कांचन, असल्या कांचुटपणान प्रतापभाईन दोतोरकेंत बरेच दुडू केल्या आसतले. पापान तुकां कुशीक लोटल्यार प्रतापभाईक घट धर. किलेंय झडलेबगर रावचें ना.

कांचन : प्रतापभाईक धरुं आनी तुकां धील सोडून खंय वचूं ?

(भितर वता.)

किशोर : प्रतापभाई, आयला तसो कांचनाचें प्रकरण मिटोवन वच.

प्रताप : तुजेलागीं जायना ?

किशोर : म्हज्या आनी पापामदल्यान ह्या दिसांनी अुजो वचना.
प्रताप : कित्याक लागून ?
किशोर : अुदकाक लागून
प्रताप : अुदकाक लागून ?
किशोर : त्या बांदाच्या अुदकाक लागून.
प्रताप : आं, किशोर म्हाका दिसता तुवें चूक केली.
किशोर : कसली ?
प्रताप : त्या दिसांची सगळी खबर पापान म्हाका पत्रान बरयिल्ली.
किशोर : हांव जाणाच आसलों.
प्रताप : तुवें पापाच्या म्हणण्यांक ह्यकार दिवपाचो.
किशोर : प्रतापभाई, तें कशें शक्य आशिल्लें ?
प्रताप : ज्या लोकांचेर पापान आयुष्यभर शेक गाजयलो, त्या लोकांमुखार तुवें पापाक विकपाचो न्हय.
किशोर : प्रतापभाई, त्या दिसाची परिस्थितीच वेगळी आसली. हावें पापाक तरातरांनी समजायलो. तरी पापान म्हाका लोकांमुखार अुबो केलो. हावें खरें तें सांगलें. फट सांगलें ना.
प्रताप : तुकां फट सांगलें ना म्हुण हांव दुशण दिना. पुण पापाक तुवें लजेक म्हारग केलो.
किशोर : प्रतापभाई, तेदेवेळार म्हजे सुवातेर तूं आसल्यार तुंवूय तेंच करतलो आसलो
प्रताप : कांय गजाली भावनेच्या सुवादीन सोडपाच्यो नासता.
किशोर : तें पापा करता.
प्रताप : तो करताच म्हण तुवेंय तें करपाकूच जाय अशें ना.
किशोर : मागीर हावें तेदेवेळार कितें करपाचें अशें तुकां दिसता ?
प्रताप : तोंड धांपून वगी रावपाचें.
किशोर : धडधडीत सत्याचो आभास मुखार चलता आसताना वगी कशें रावूं येतालें ?
प्रताप : चलतालो तो सत्याचो आभासूच मरे ! मागीर अेक ना अेक दीस सत्याचें दर्शन जातलेंच आसलें.
किशोर : म्हाका तें त्याचवेळार घडोवपाचें आसलें.
प्रताप : तरण्या रगताचो परीणाम हो.
किशोर : मागीर तरण्या रगताकडल्यान तुकां कसलीं भिजूडपणां अपेक्षित आसा ?
प्रताप : हांव पापाचे बडीर वतां अशें समजूं नाकां. पुण सादी

गजाल पळय. बांद कशेय परिस्थितीन जातलोच हें तुकां खबर आसा मरे ?

किशोर : हय.

प्रताप : मागीर तुवें पापाच्या आड अुबो रावपाची गरजूच ना.

किशोर : प्रतापभाई, पापाचे मिजासीचेर जैत जोडपाक हांव आपखोशयेन ताचेआड अुबो रावूं ना. हांगची परिस्थिती ताका कारण आसा. या बांदाच्या प्रकरणांत राजकीय रागरंग येता. पापाकूय ताचें भान ना. तें समजून घेवपाचे अवतिकायेत तो ना. बांदाचें राजकारण करून हांगच्या लोकांच्या खुस्तार आपणाल्यो कदेली घट करूंक सोदपी राजकरणी मनशांपासून आमीं हें प्रकरण कुशीक दवरूंक सोदतात.

(प्रतापाक समजावणी मेळटा)

हांव वता. मिटींग आसा. पावपाक जाय.

प्रताप : कसली ?

किशोर : बांदाक सपोर्ट करपाची आनी हांगच्या लोकांच्या पुनरवसणूके संबंदान विचार करपाक.

प्रताप : पापाक खबर आसा ?

किशोर : कल्पना ना.

प्रताप : मिटींगेक पापाचो विरोध आसतलो न्हय ?

किशोर : अर्थात आसतलोच.

प्रताप : म्हणटकच बापायपुताचें झूज पळोवपाची संद मेळटली तर.

किशोर : घडये पापाच्या दुदैवान आनी म्हज्या नाईलाजान.

प्रताप : बेगीन परत येतलो ?

किशोर : कांय सांगूंक जायना. पुण तूं रावतलो न्हय ?

प्रताप : घडये रावन. सगळें पापाच्या वादळाचेर आदारून आसा.

किशोर : हांव जाता तितले बेगीन येवपाचो यत्न करतां.

(किशोर भायर वता. प्रताप जनेलाकडेन वता आनी भायलो वाठार तन्मयतायेन पळयता. भितरसावन कांचन येता.)

कांचन : **आज हो सर्वंगी सुखसुंवाळो**
पळोवन घे
नदरेंत भरुन घे
फायच्या पोटांत कितें आसा
समजून घे.

प्रताप : वा ! सुंदर !

कांचन : कितें? देखाव काय कविता ?

प्रताप : तुळा करून सांगूंक जांवचें ना. पुण दोनूय चिजो सुंदर. कोणे रचल्या ?

कांचन : हो भायलो देखाव निर्माण केला पापान आनी हावें म्हणिल्ली ही कविता किशोराची.

प्रताप : खरेंच, किशोर म्हळचार आमच्या घराण्याची शान !

कांचन : हें पापाक समजल्लें जाल्यार....

प्रताप : पापाक समजूंक नाशिल्ल्यो खूब गजाली आसा या संवसारांत.

कांचन : समजना त्या गजालींक कींकोंत लेखपाची बड आसा ताका.

प्रताप : कितें करतलो ? सभावाक वखद नासता. पुण अेक गजाल खरी.

कांचन : कसली ?

प्रताप : आपणें वसयिल्ली भूंय सोडपाचें दुःख ती भूंय वसयतल्याकूच कळपाचें. म्हजो हरशीं हे भुंयेकडेन तसो काळजाचो संबंद आयलोच ना. म्हजो फकत जल्म हांगा जालो इतलेंच पुण तरी लेगीत हो सगळो वाठार आनीक पांच वर्सांनी नदरेआड जातलो, न्हय केन्नाच दिसचोना हे कल्पनेन हांव खिणभर काळजांतसावन हाल्लों.

कांचन : म्हजीय अवतिकाय तशीच जाता. पुण पापा बांदाक विरोध करता तो फकत भाटबेंसूच बुडटलें म्हुण न्हय. ताचें आनीक कितें तरी व्हडलें लुकमाण जातलें अशें दिसता.

प्रताप : जातलेंच चार दिसांखातीर मेळील्लें मंत्रीपद लेगीत नश्ट जाल्यार आत्महत्या करपाची सवंय आसा आमच्या लोकांक. हांगा अेका वैभवाकूच सुरींग लागता.

कांचन : किशोर खंय गेलो ?

प्रताप : त्याच सुरींग लावपाच्या कामाक.

कांचन : चल, हावें तुका च्या केल्या.

(दोगांय भितर वतात. कांय वेळान भायरसून भाटकार अंताक हंटरान बडयत हाडटा. अंता हुयेली मारता.)

भाटकार : अन्न खाता कोणाचें ? आनी जागता कोणाच्या अुतराक रे ?

अंता : भाटकार आमी तुमच्या अुतराभायर केन्नाच ना.

भाटकार : मागीर आज मिटींगेक कोणे हांवें आपयिल्ले तुमकां ?
अंता : ना भाटकारा.
भाटकार : मागीर गेले कशे ?
अंता : धाकल्या भाटकारान आपयिल्ले.
भाटकार : (आपलेभितर सुस्कारता) तुमी कोणाच्या अुतराक पाळो दितले ?
अंता : तुमच्या.
भाटकार : अेका तोंडान ह्य म्हणटले, दुसऱ्या तोंडान बासतले. माळणाची जातवड. दोन तोंडी. बांद जाय तांकां बांद.
अंता : आमकां बांद नाका.
भाटकार : मागीर मिटींगांक कित्याक धांवतात ? सुरय तांदळाचे साक वांटटले थंय ?
अंता : तुज्या धर्मान अुकडचा तांदळाची पेज मेळटा ती पुरो आमकां.
भाटकार : हो बांद जाल्यार पेजेक लागतले म्हणपाची खबर ना तुमकां. सरकार आनीक दुसरेकडेन कित्याक बांदीना बांद ? थंय ना न्हंयो ? थंयचे लोक तुमचेसारके होने न्हय कोणूय सांगतां तें आयकुपाक.
अंता : आमकां आनीक कोण सांगना. फकत किशोरबाब सांगता म्हण आमी आयकतात.
भाटकार : (सुस्कारून) किशोर ! ताचें आयकता ! ओंठ पिळचार दूद येत त्या भुरग्याचें आयकता आनी घणसाबैलावरी मानो हालयतात. जल्मांचे बैल. खरें फट पारखुपाची मात अक्कल ना. सरकार पुनरवसणुक करतलो खंय तांची. हातांत भिकेची कट्टी दितलो आनी तळपटचा सड्यार व्हरून सोडटलो. खंय भिकेक धांवतले मागीर ? थंयच्यो पडींग भुंयो पिकाळ करतले खंय ! कश्यो ? जादूची कांडी भोंवडावन ? हीं म्हज्या आज्यापणज्यांची शेतां आनीक खंय सोडून सांपडूंक आसा ?
अंता : भाटकार, शेतां बुडटा तेजे पैशे मेळटलें खंय ! भाटकाराक आनी –
भाटकार . आनी कोणाक ?
अंता : आनी शेत कसतल्यांकूय मेळटले खंय.
भाटकार : आरे कपनखायऱ्यांनो, म्हणून हो बांद तुमकां जाल्लो जाय ? म्हजीं शेतां कसतल्यांक आपले शेताचे पैशे

मेळटले म्हण तुमकां बांद जाय ? कसले पाडे वान्सेचे कपलफुटक्यांनो ? जांचेर संवसार अुबाल्ले त्या शेतां-विशीं अशें चिंतताना तुमच्या मेंदवाक किडे कशे पडले ना काय म्हणटां ?

अंता : आनी दर अेकल्याक घराक पैशे आनी कसपाक हक्काची जमीन मेळटली.

भाटकार : दळडिन्यांनो, असलो सुवार्थी विचार तुमचे तकलेंत घर करूंक लागलो ? हांगचें सुखाचें भागेलपण सोडून वेंतभर जमनीचे धनी जावपाचीं सपनां पळोवपाक लागले. ही आसा तीं घरां वायट ? हावें म्हज्या नांवार दवल्ल्यां म्हण ? तुमच्या घरांत केन्ना भितर सल्ला ?

अंता : पुण भाटकार आपणालें हक्काचे कितेंतरी आसप . . .

भाटकार : (रागान) हक्क ? आतां तुमकां हक्क येवजुपाक लागले? सुण्याच्या पोरांनो, हक्क जाय ? घे, हो तुमच्या हक्काचो पेट. खायात. फाटी खोरजल्या तुमच्यो. कातीं दाट जाल्या. हक्क जाय ? खायात. हक्क चाटून खायात.
(अंताक सपासप हंटरान मारता. तो हांगांथंय धांवून हुयेली मारता. भाटकाराक अखेरेक धाप लागता.)

अंता : (निबरपणान) हय. भाटकार आमकां हक्क जाय. अितलो तेप सांगपाक धाडस नासलें. आयज सद चलून येयल्या. आयज सांगपाकूच जाय. ह्या खिणांक सांगना जाल्यार आमची फुडली पिळगी लेगीत तुजी गुलाम जातली. आमकां आतां तुज्या अुपकाराचें ओजें नाकां. तुज्या भागेलपणाच्या जुंवान, मानो मोडल्यो आमच्यो. अितलीं वर्सां घामकश्ट करून आमचीं शेतां केन्ना आमचीं जालीं ना. अेक कणस केन्ना हक्कान कातरुंक मेळळेंना. नाल्लांक कोंब काडून माड मळबाक भिडयले पुण केन्ना हक्कान अेक नाल्ला बोंडो तोडूंक मेळळो ना. पडंग मळार काजुचीं रानां मातयलीं पुण केन्ना हक्कान काजूची बी वळपाक मेळ्ळी ना. तुवें आमकां पोटाक दिलें पुण कश्टाचें मोल म्हण न्हय. भीक म्हण घातली. आपणाल्या पोशान अुदक पियेपाची भावना आमच्या रगतांत रुजोवपाचो यत्न केलो. आमकां मनीस म्हण केन्नाच जगपाक दिले ना. आमचें म्हण तुवें केन्नाच कितें दवल्लें ना. भाटां बेसा, घरांदारां तुजींच जालीं आनी आमचे घराबेलेगीन तुजे

सांवळेपासून पयस अुल्ले ना. आमच्यो बायलो आमच्यो अुल्ल्यो ना. हड्डुचार हात मारून सांगूंक जावंचेंना आमची रगताची संतत खंयची आनी तुज्या रगताची खंयची! चारी वटयां हातासले आमकां.हे पिळगेपुरतें हें पुरो.आमची नवी रोपली तुज्या सांवटाखाला सांवटेल्ली आमकां नाकां. आनी ह्याचखातीर आमकां तो बांद जाय. ज्या बांदान हें सगळें बुडून वयतलें. आनी मागीर कांयच घडूना अशे भावनेन आमी पडींग सडचार आमचे स्वतंत्र संवसार अुबारतले. सांगपाचें सांगून जालें म्हाजें. आतां मार म्हाका खा म्हाका. पुताक लंगडो केला. म्हाका काबार कर. निमाणीं संद. घे. ते संदीचो लाव घे. गाजय. निमाणें भाटकारपण गाजय हे दुबळे कुडीचेर. मागीर आनीक केन्नाच गाजोवंक मेळचेंना.

(भाटकार रागान रसरसला. अंताक नेटान मारपाक तो हंटर अुबारता. अंता आंग तायट करून मार सोंसपाचे तयारेन रावला.)

भाटकार : (आड्डून) अंता ऽऽ

प्रताप : (भितरसून भायर येत) पापा,

भाटकार : (हात सकल घेता. हंटर कुशीक वडयता.)

प्रताप : (अंताक) चल तूं

(अंता भायर वता.)

भाटकार : (कांयच जांवं ना अशें भासोवन सहजतायेन) तूं केन्ना आयलो ?

प्रताप : मुंबयच्यान काल पावलों. आज कांचनाक वांगडा घेवन हांगा आयलों.

भाटकार : बरें केलें.

(खिणभर दोगूय वग्गी.)

भाटकार : तर हावें तुका पत्रांनी सगळें बरयलांच.

प्रताप : कित्यासंबंदी ?

भाटकार : आनी कित्यासंबंधी ? हांगा म्हज्या जीवनमरणाचोच तो प्रश्न जावन आसा. हालीं म्हाका न्हीद लेगीत सारकी पडना. रातभर झळपेतां. चित्रविचित्र सपनां पडटात

प्रताप : पापा, तुवें तुजे प्रकृतीक जपपाक जाय.

भाटकार : हांगा पांयापोंदची भूंय कोणतरी ओडून व्हरता अशीं सपनां पडटात आनी प्रकृतीक जपपाचें धंगण कोणाक

अुरत ?

प्रताप : दुबळ्या मनाचे खेळ ते.

भाटकार : पुरो ! तुजो पापा जाणटो जाला जायत. दुबळो न्हय. ताका दुबळो करपाचे यत्न मात चलतात. सगळ्या थरांतल्यान. तूं कितें चिंतून आयला ते सांग.

प्रताप : कितें चिंततलों ?

भाटकार : सरदेसायलो व्हडलो चलो तूं. म्हज्या अितलोच तुज्या अुतराक हांगा मान आसा.

प्रताप : पापा, मानापानाच्यो गजाली कुशीक दवरुनूच या प्रश्नाकडे पळोवचें पडटलें.

भाटकार : म्हणजे म्हाका म्हज्या भाटकारपणाचें कट्टें काडून दवरचें पडटलें ?

प्रताप : कट्टें जाल्यार काडून दवरपाक कसली हरकत आसा?

भाटकार : ह्या जल्मांत तरी तें शक्य ना.

प्रताप : देखून हावें म्हळें तुजें मन दुबळें.

भाटकार : हय. फक्त म्हजें मन दुबळें म्हगेर जल्मांक आयल्या ती संतत मात शूर. पराक्रमी. अेकल्यान सुरवात केल्या न्हय पराक्रमांक !

प्रताप : कोणांविशीं म्हणटा तूं ?

भाटकार : आनीक कोणाविशीं ? धाकले धाकले म्हण लाड केले आनी बाब्र सर्पाचे जातीर गेले. आज चड कित्याखातीर फडफडटां जाल्यार हे गजालीखातीर. सरदेसायाच्या घराक भितल्ल्यान पोखरणी लागली. आतां व्हडलो म्हण तुजेर सगळी जापसालदारकी आसा.

प्रताप : कसली ?

भाटकार : हें – हें सगळें निसंतानाक वता तें सांवरपाची.

प्रताप : पापा, तूं अतिताय करता.

भाटकार : हांव अतिताय करतां ! तांचीं भाशणां आयक. मागीर कळून येतलें कोण कितें करता तें. मातशी बांदाची गजाल कुशीक पडूनी. मागीर दाखयतां. जांच्या खुस्तार म्हाका शह दिता तांचेच पंगतीक बसयतां व्हरून.

प्रताप : पापा, तूं खूब फाटलें चिंतता. परिस्थिती कितलीशीच मुखार पावल्या.

भाटकार : परिस्थिती मुखार पावल्या! म्हणजे कितें जालां?

प्रताप : म्हणजे तूं चिंतता तशें घडपाची आतां कांयच शक्यताय

ना.

भाटकार : हें सांगपाक तुकां मुंबयच्यान हांगा आपोवं नासलो.

प्रताप : तुवें तशें स्पश्ट बरयल्यार हांव येवचोच नासलों.
(भाटकार मातसो नरम जाता.)

भाटकार : आनीक कसलो अुपाय अुरूंक ना म्हणटा?

प्रताप : कसलो?

भाटकार : ह्या बांदाक विरोध करपाचो.

प्रताप : पयली गजाल म्हाका कळना ती – ह्या बांदाक विरोध जावचोच कित्याक?

भाटकार : कित्याक जांवचो न्हय? मातशे दोळे अुकते करून पळय रे पापया. ह्या बांदाखातीर चडान चड भूंय बुडटा ती म्हजी. ही दुख थोडी? आरे, म्हजें सगळें भाटकारपण रसातळाक पावतलें हो बांद जाल्यार.

प्रताप : काळाचीं पावलां वळखूंक शीक पापा. जमनीचे बाबतित रशिया आनी चीनांत कसले आकांताचे बदल घडल्या तें पळय. देशाचे अुत्तरेक जमिनदारांचे कितें जातां तें पळय. थंयच्या सारके हांगा नक्सलवादी ना हाचो अर्थ हांगा सगळ्या थरांत स्वस्थताय नंदता असो न्हय. अंताच्या अुलोवण्यावयल्यान तुकां बोध जाला आसतलो. अेक काळ जमीनदारांचो आसलो. त्या काळाचो लाव ताणीं घेतलो, फावलें तांकां. नव्या काळांत तुज्यासारक्या भाटकारांक सुवात ना. जें फाल्यां तुजें अुरचें ना तें जीव मारून जपून दवरपाची व्यर्थ धडपड कित्याक?

भाटकार : धडपड म्हज्या रगतांतूच रूजल्या. हें सगळें वैभव देवालें आयतें ताट कशें हातान पडूंना. वेंत वेंतभर भूंय वसोवपाक कळसो कळसो रगत आटयलां.

प्रताप : ते भुंयेचें मोल सरकार फारीक करता. दुपेटीन.

भाटकार : ते आस्तेन सगळें वीक म्हणटा.

प्रताप : दुसरो पर्याय ना म्हण वीक म्हणटां.

भाटकार : आरे, ह्यावेळार तुमी म्हाका धीर दिवपाचो, म्हजे फाटल्यान सगळे शक्तीसयत अुबे रावपाचे.

प्रताप : म्हणजे तुज्या म्हणण्याप्रमाण आमी काळाचें भान दवरीनासताना कुड्डे जावपाचे.

भाटकार : किशोरान शिकयला दिसता तुकां.

प्रताप : म्हजी बुद्ध सामकीच थिटी पडूंक ना.

भाटकार : थिटी कित्याक पडटली? अूंच वाडल्या तुजी बुद्धिमत्ताय. मळबाक भिडल्या. हांवच दयडिरो! गिड्डो! म्हजीच नदर पावना थंय. सगळयांची बुद्धिमत्ताय वाडल्या पुण बापायक आदाराक अुपकारता अशी मात जावं ना.

प्रताप : पापा,

भाटकार : अं,

प्रताप : म्हाका दिसता, तुवें हे बाबतीत किशोराचें आयकुचें.

भाटकार : अशें!

प्रताप : हय. तेंच फायद्याचें जातलें.

भाटकार : तुवें येतना अेक बाबासूट आनी अेक दुदाचो बोम कित्याक हाडलो ना?

प्रताप : कितें?

भाटकार : हय. म्हणजे बाबासूट घालतकूच आनी बोमाची चींव तोंडान धरतकूच किशोरबाब कितें सांगता तें भुरगो जावन मोन्यानी आयकुपाक मेळटलें आसलें.

प्रताप : तूं मस्कऱ्यो करता जाल्यार हांव मुखार अुलयना.

भाटकार : अुलय तूं. तूं अुलयलो ना म्हण म्हज्यो मस्कऱ्यो चल्ल्यात त्यो थांबपाच्यो नात.

प्रताप : म्हजें म्हणणे अशें–बांद जाता हें मतींत धरूनच मुखावयलीं पावलां घालपाचीं. आसा नाशिल्लें वजन सरकारांत वापरून जमनीचें मोल चडानचड मेळटलें हे खातीर यत्न करूंक जाय. हीच निमाणी संद आसा. हांव काल वासपूस करून आयलां ताणीं पिकाळ जमनिची चौखण्या मिटराक किंमत धल्ल्या ती खंयचेच नदरेन लुकसाणांक ना. हावें काल आनीक अेक गजाल आयकली, सरकार फारीक करता तें मोल पळोवन जायत्या जाणांच्या तोंडाक अुदक सुटलां. जांची जमीन त्या बांदाच्या वाठारांत येना ते भाटकार लेगीत आपणाले जमनिचो तातूंत आसपास जावचो म्हण हरतरांनी यत्न करतात. अशा वेळार तुजी ही बांदाक विरोध करपाची भूमिका सामकीच अवेवहारी आनी कुड्डेपणाची दिसता. फाल्यां आमी आमचें बेंस विकपाचें थारायल्यार आतां मेळटा ताचे पावपटीनूय आमकां दुडू मेळचेनात. आतां मेळटा त्या दुडवांनी आमी जाय जाल्यार दुसरेकडेन भाटबेंस घेवं येता. अुद्येगधंदो सुरू करूं येता. जायतेदो बंगलो अुबारूं येता. आनी पापा,

आयचे घटकेक म्हाका पैशांची खूब गरज आसा. मुंबयत म्हजी दोतोरकी बरी चलता पुण म्हजें स्वतःचे अशें कांयच ना. हांव मुंबयत हॉस्पिटल बांदूक सोदतां. जाग्याचीं अुलोवणी चालू आसात. हे घटकेक अेक लाखभर रुपया म्हज्या हातांत पडल्यार म्हजो फुडार अुजळ जालेबगर रावचो ना.

भाटकार : (संतापान) तोंड बंद कर! आनीक मुखार आयकुपाचें ना म्हाका. बापायल्या सरणार आपणाली पोळी भाजून घेवपी हीण वृत्तीच्या भुरग्यांक जल्म दिव नासलो हावें. (प्रताप मोन्यांनी भितर वता.)

भाटकार : (अुलो मारता) अंता ऽऽ
(अंता सोडून गेला म्हणपाचें लक्षांत येता. पासयो मारता आनी जनेलांत पळयत थीर रावता. भितरसून कांचन पिवपाक घेवन येता.)

कांचन : (कांचवेत) पापा,

भाटकार : (वग्गी)

कांचन : पापा, जनेलांत कितें पळयता?
(पिवपाक दिता.)

भाटकार : ह्या जनेलांत सावन अुडून वतना ह्या पातक्याचो आत्मो कसो दिसतलो ताची कल्पना करतां.

कांचन : कित्याक अभद्र अुलयता घरांत ?

भाटकार : हांव फकत अुलयतां पुण हे मठयेंत अभद्र घडटा.

कांचन : ते सुखाचे दीस परत येतले.

भाटकार : ना धुवे. तें सूख म्हळचार दिशांतरा गेल्लीं सवणीं न्हय. पुण म्हाका अुतळताप सोसचे लागले म्हण तुज्या सुखाक हांव खंयच कातर लावचो ना.

कांचन : (दुबावान) खरेंच पापा ?

भाटकार : दुबावलें कित्याक ?

कांचन : (कांचवेत) ना पापा...

भाटकार : कांचवेलेंशें ! (लागीं वचून) कितें जालां धुवे ? अशें बाबडें जांव नाका घरांत कितें घडटा ताचेर लक्ष दिवं नाका तूं. (निर्धारान) सगळयो गजाली जुस्ताजुस्त थाऱ्यार पडटल्यो. हांव तुचेंच दालें जड करतलों.

कांचन : (आडखळत) पापा, पापा म्हाका तुज्या दुडवांचो सोंस ना.

भाटकार : सोंस आसा अशें हांवें खंय म्हळां ?
कांचन : पापा, म्हाका तुजो मोग जाय.
भाटकार : पापान तो केन्ना फाल्त केला ? पुण आज मोग मागपाकशें लागलें ? हरशीं पापाकडसून मोग झगडून घेतालें.
कांचन : पापा... परिस्थितीच अशी विचित्र जाल्या...
भाटकार : आनी पापाच्या मोगाचेर सुद्धा दुबाव येवपाक लागला न्हय ?
कांचन : तशें न्हय पापा.
भाटकार : तूं कितें तरी सांगपाक सोदता कांचन.
कांचन : हय पापा...
भाटकार : पुण सांगपाक आडखळटा. धाडस जायना तुकां.
कांचन : हय पापा ...
भाटकार : सांग, सांग. भियेनासतना सांग तुजी आवय आशिल्ली जाल्यार तिकाच सांगतलें आशिल्लें न्हय ?
कांचन : हय पापा.
भाटकार : जल्मभर हांवूच तुजी आवय आनी हांवूच तुजो बापूय. सांग, कितें सांगपाक सोदता ?
कांचन : म्हाका भिरांत दिसता.
भाटकार : तुजो पापा वाग कसो दिसता ? आगो, आतां भागेलीसुद्धां म्हाका भिवचेनात आनी तूंशें भिता ? हांव दोळे धांपूं ?
कांचन : फकाणा करूं नाका रे.
भाटकार : पिशा, फकाणां तूंच करता.
कांचन : (अेकदम) पापा, म्हजो कोणाचेर मोग आसा.
भाटकार : (हांसता) पेडे वांटूया. पेडे वांटूया.
कांचन : पापा, तुकां राग आयलो ना ?
भाटकार : कित्याक ?
कांचन : हावें तुका सांगनासतना मोग केलो म्हण.
भाटकार : मोग म्हळचार कास गो ? सांगून करपाचें ? पुण म्हाका राग येवं येता.
कांचन : कसो ?
भाटकार : तुजो मोगी जर –
कांचन : हय पापा.
भाटकार : कितें ?
कांचन : तो तुकां राग येवपासारकोच आसा.
भाटकार : तसो मुद्दम वेंचून काडला ?

कांचन : आमचो मोग जाला.
भाटकार : शिकूंना ?
कांचन : म्हज्याच बराबर शिकता.
भाटकार : सामको गरीब?
कांचन : आमचे सारको भाटकार न्हय पुण जोड बरी आसा.
भाटकार : कितें करता?
कांचन : शिकता आनी आपणाल्या दुकानाचे वेवहार पळयता.
भाटकार : कसले दुकान?
कांचन : चप्पलाचें.
भाटकार : (दुबावान) चल्याची जात?
कांचन : चामार.
भाटकार : कांय नजो. (कुचित्रिपणान) जात बदलूं येता.
कांचन : ताची जात बदलपाची गरज ना.
भाटकार : ताची न्हय. म्हजी जात बदलतां हांव आनी ताचे पंगतीक येतां. म्हणजे मागीर सरदेसाय भाटकारान चामाराक धूव दिली म्हण म्हजें नाक कापूंक नाकां
कांचन : ते जातींत जल्मांक आयलो हो ताचो गुन्यांव न्हय.
भाटकार : आमी वयले जातींत जल्मांक आयले हो आमचो दोश.
कांचन : म्हाका जायते फावट खंत भोगता ते गजालीची.
भाटकार : कसले?
कांचन : म्हजे जातीची. आज जात मिरोवपाचे दीस अुरूंक ना.
भाटकार : इभ्रत नश्ट करपाचे दीस उदेंवक लागल्या.
कांचन : कसली इभ्रत घेवन बसला?
भाटकार : घराण्याची इभ्रत!
कांचन : घराण्याची इभ्रत म्हळ्यार बेबकाचें कोंड. बेबकाक दिसता तें अतिसुंदर पुण ताचेकडेन पळोवपी, तोंड वांकडें करूनूच थंय पळयता.
भाटकार : जीब सैलावली तुजी.
कांचन : तुज्या भाटकरपणाची व्हडविक तुजेपुरती, तुज्या बेंसा–भितर पुण भायर तुजे व्हडविकेची टवाळी चलता.
भाटकार : कोण सांगता तुकां?
कांचन : हावें आयकला म्हज्या कानांनी. खंयूय गेल्यार म्हाका तुजी धूव म्हण मानान पाट मेळटा पुण फाटल्यान कान किट्टा तसलीं अुतरां आयकुची पडटात.
भाटकार : कसलीं अुतरां?

कांचन : तुज्या जुलमाचीं वर्णनां. तुज्या अनैतिकपणाच्यो काणयों. तुजे चैत्रेचे पराक्रम! म्हाकाय दिसतालें आदीं, दुडवांनी सगळे विकतें घेवं येता म्हण. पुण खरे न्हय तें.

भाटकार : आता कितें करपाचें येवजिलां? हांवें अितलें वायट केलां तें लिपोवपाखातीर तुवें कसले कीर्तिचे दिवे पेटोवपाचें येवजिलां ?

कांचन : (वग्गी)

भाटकार : अुलय, ह्याचखातीर मोटार जाय आसली तुका. ताचे जातीचो अुद्दार करपाक?

कांचन : कितें अुलोवपाचें आसा तें म्हाका अुलय.

भाटकार : म्हजेर मर्यादा घालूंक लागलें. शींगा आदलीं काय कान आदले गो? मोटार दितां तुका.

कांचन : परत सांगतां, म्हाका तुजे गिरेस्तकायेचो सोंस ना.

भाटकार : आनी पापाचो मोगूय ना अशें कित्याक म्हणीना?

कांचन : (कळवळटा)

भाटकार : काळीज ओडटा न्हय? पुण म्हाकांच आतां दुबाव येवपाक लागला. थंय काळीज आसा काय आनीक कितें....

कांचन : अुलय पापा, तुकां जाय तें अुलय.

भाटकार : पापा म्हणूं नाका म्हाका. तुजो पापा मेलो. (कांचनाच्यान सोसूंक जायना. कांय वेळ दोगांय वग्गी.) म्हणटकूच तूं ताचेलागीं लग्न जातलें तर.

कांचन : हय.

भाटकार : म्हजे कडसून फुटकी कवडीय मेळची ना.

कांचन : म्हाका मेळटले इस्टेटीचो वांटोय मेळना जाल्यार जाता.

भाटकार : खंयचे इस्टेटीचो वांटो ?

कांचन : बांद जातकच आमच्या चोंगाच्याय नांवार वांटून येतले तुजे इस्टेटीचो वांटो.

भाटकार : कोणें सांगलें तुका हें ?

कांचन : प्रतापभाईन.

भाटकार : अशें! म्हणटकच ह्या बांदाचो लाव घेवन तुमी आपलेपरी सुगूर जावंक सोदतात तर. तुमचो बापूय जावन ही गजाल म्हजे मतींत खूब अुसरां आयली मायेची लेकरां म्हण खूब भरवंसलो हांव तुमचेर पुण तुमी....

कांचन : तशें न्हय.

भाटकार : आनीक अेक जाप नाका. म्हजे नदरेमुखावयलें हुंवाळ.

आजपासून हें घर तुका सोंपलें. सासणाचें.

कांचन : तुज्या घरांतलें कुस्कूट घेनासतना चल्लें हांव.

भाटकार : कित्याक व्हरतलें काय म्हणटां.

(कांचन वचपाक वता. अितल्यान भितरसून प्रताप येता.)

प्रताप : राव कांचन.

(कांचन थारता.)

भाटकार : अेक खिणभर लेगीत तें ह्यांगा रावचें ना.

कांचन : प्रतापभाई, म्हाका आडांव नाका.

प्रताप : तुकां आडायना. तुजेबराबर ह्यांवूय भायर सरतां.

कांचन : तूं रावना ?

प्रताप : ना. म्हाका आत्तांच वचपाक जाय. (थंयच थारता.)

भाटकार : मागीर गणयता कित्याक तर ?

(किशोर येता.)

प्रताप : यो किशोर, तुज्याचखातीर रावतालीं.

किशोर : येन्नाच चल्लीं ? आनी दोगांय ?

कांचन : किशोर ! म्हाका विसरूं नाका...

(कितें घडलां म्हणटा ताचो किशोर अदमास घेता.)

किशोर : केन्नाच ना.

प्रताप : येतां आमी. किशोर, पापाक सांबाळ.

भाटकार : असल्या अुखलाप्या कळवळ्याचेर थुंकतां हांव. पापाक सांबाळ ! आतां कितें मेळपाचें आसा पापाकडसून ! इस्टेटीच्या वांटयाचे दुडू भायलेभायर हातांत पडटले. मळबाक तेंकले हात. आपसुवार्थाचे सुगूर्वें....

(कांचन आनी प्रताप भायर वतात. किशोर पडवे वरसून सकल देंवता)

भाटकार : (किशोराच्या आंगार झुडोन वता.)

तूं – तूं तरी कित्याक येता म्हज्या घरांत ? वच काडोन. चल तांचे बराबर संगळी संतत कपनखायरी जाली. म्हाका हुमटुवपाक लटापटी करतात. पुण हांव बदचो ना कोणाक कोणाक भीक घालचो ना. येयात म्हजे इस्टेटीचे वांटे सोदूंक. घालतां तुमचे भकीक. कोणाच्या कपलाक पै लागूंक दिवंचोना. पयलो भाटकार मागीर बापूय. म्हजे वंशवालीक कोण जालींच ना. निपुत्रीक आसां हांव. निपुत्रीकूच म्हण मरतलों आनी समंद जावन अुरतलों. पळयशात.

किशोर : पापा, पापा तूं पिसावला !
(किशोर ताका सांबाळपाक वता. भाटकार रागान ताचेर थापट मारता)

भाटकार : हात लावं नाका म्हाका.

(काळोख. पड्डो पड्टा.)

आंक : तिसरो

(थळ तेंच – दुसऱ्या अंकांतल्या घडणुकां अुपरांत सुमार चार–पांच वर्सांचो काळ लोटला. घराक अवकळा आयल्या. तिनसांज. भाटकार ओल्तेरार बसला. पोखरणेक लागला. चित्त थाऱ्यार ना.)

भाटकार : (अुलो मारता.) अंता ऽऽ

किशोर : (भितरसून येत) पापा,

भाटकार : अंता खंय? लायट कित्याक पेटोव ना आजून?

किशोर : पापा, तुकां कितले फावट सांगलें, हांगा तुजे आनी म्हजे बगर जितो मूस ना. लायटीचें कनेक्शन तोडून कितलो तेंप जालो.

(लापयांब पेटयता)

भाटकार : म्हजे सगळे भागेली?

किशोर : ताणी केन्नाच घरांदारां सोडलीं.

भाटकार : खंय आसात सगळे?

किशोर : सगळे नवी जमीन वसोवपाच्या वावराक आसात. सुखी आसात.

भाटकार : सुखी आसात! म्हाका हांगा दुखाच्या होमकणात वडोवन?

किशोर : पापा, निमाणे घटकेकूय तांचें सुख तुज्यान पळोवं नजो?

भाटकार : कोणाचे निमाणे घटकेक? म्हजे? म्हज्या मरणाची वाट पळयत बसला तूं ?

किशोर : तुज्या मर्णाची न्हय. तूं घरांतल्यान भायर सरपाची वाट पळयत बसलां.

भाटकार : तुकां हजार फावट सांगलें न्हय, हांव हें मठयेंतल्यान भायर सरपाक ना.

किशोर : सगळो गांव बुडला. थंयचे लोक केन्नाच नवे सुवातेर गेले. आमचें घर अुबारेर म्हण निमाणें बुडपाक अुल्लां. अितली मेरेन सुवात बुडली म्हणटकच बांदाचो थारायिल्लो प्रकल्प पुराय जातलो.

भाटकार : फकत म्हजें घरच बुडोवन जावंचेना.

किशोर : मागीर ?

भाटकार : तातूंन म्हाकाय बुडोवचो पडटलो. म्हजो अुदकांत बळी दिलेबगर हो बांद पुराय जावंचो ना.

किशोर : तूं हांगचो हालना जाल्यार मागीर हावें सांगलां तशें.

भाटकार : कितें ?

किशोर : सरकारी आज्ञेप्रमाण तुकां पुलीस बळजबऱ्यां अुखलून व्हरतले. पापा, अितले दीस हांव सरकारी अधिकाऱ्यांच्या हातापायां पडून वगी रावलों. म्हाका दिशिल्लें, हांव तुकां समजावंक शकतलों आनी मागीर तूं म्हजेवांगडा येतलों. पुण म्हजे सगळे यत्न व्यर्थ थल्ले.

भाटकार : तूं कित्याक रावला म्हजेवांगडा ? हावें म्हाका निपुत्रीक केन्नाच मानला.

किशोर : मागीर जितेपणीं असो समंद जावन कित्याक पिडटा म्हाका ?

भाटकार : हांव रावतलों हांगा अेकलोच. कोण रांदून वाडूंक नाका म्हाका. म्हजे बांयचें अुदक पियेवन दीस काडटलों.

किशोर : हांगा दीस सारपाच्यो गजाली आतां सोंपल्यो. फाल्यां सकाळीं सरकारी मनीस येतले. हें घर मोडटले. आनी तूं भायर सरना जाल्यार तुजी चुमडी मोटारींत घालून व्हरतले.

भाटकार : सरकारी मनीस ! म्हजें घर मोडटले ? म्हजी चुमडी अुबारतले ? हांव जिवो आसासर म्हाका आनी म्हजे मठयेक बोट लावंक दिवंचो ना. बेसां बुडयलीं तीं बुडयलीं. म्हजे मठयेक कुस्कुट बादूंक फावना.
(कळवळून) सर्गांत पावतकूच म्हज्या पितरांक कितें जाप दितलों हाव ?

किशोर : पापा, तूं सर्ग – नरक मानताच जाल्यार सर्गांत पावतकूच देवाक तुज्या पापांची कितें जाप दितलो ताचो आदीं

विचार कर.

भाटकार : अितलीं पापां केलीं रे हावें ?

किशोर : तीं धुवून काडपाकूच हो येदो व्हडलो बांद बांदून अुदक सांठोवचें पडलें.

भाटकार : आतां पवित्र जातली ही भूंय ?

किशोर : कित्याक जावंचीना ?

भाटकार : मागीर हांव अितलों पातकी जाल्यार तूं म्हाका नवे भुंयेर व्हरता ती भूंय म्हज्या पावलान पातकी जावंचीना ?

किशोर : ना. थंय तुजो पुनर्जल्म जातलो.

भाटकार : पयलीं हांव हांगा मरतां. मागीर पुनर्जल्माच्यो गजाली पळोवंया.

किशोर : पापा, तूं म्हजें आयकुचोना ?

भाटकार : खंयच्या पोरान म्हजें केन्ना आयकलें म्हण हांव तुजें आयकूं ?

किशोर : मतींत दवर, फाल्यां सकाळीं कशेयभशेन तुका घरांतलो भायर सरचोच पडटलो.

भाटकार : आनी खंय वचूं तोंड घेवन ?

किशोर : हावें घर बांदला थंय यो. प्रतापभाईन मुंबय रावपाक आपयला थंय वच. कांचनाल्या घरा रावपाक लेगीत हरकत ना. नाजाल्यार तुका जाय थंय घर बांदून दितां. थंय समाधानान राव.

भाटकार : हांगांसल्लो वच म्हणटा आनी समाधानाच्यो गजाली अुलयता ? म्हजो जीव आनीक खंयच तगचो ना. ही सुवात सोडून दुसरे खंयचेयकडेन स्वास घेवपाक लेगीत जमचेंना. म्हजी वार हांगाच पुल्लया रे पापया. म्हाका कित्याक हुमटूंक सोदता ?

किशोर : तूं तुजो हट सोडपाक तयार ना तर.

भाटकार : ना.

किशोर : मागीर फाल्यां सकाळीं कितें जाता ते पळय.
(किशोर भितर वता.)

भाटकार : पळयतलों कितें जाता तें आनी कशें जाता तें !
भायल्या अुजवाडाक दोळे दिपकावतले म्हजे. म्हाका हो काळोखूच पुरो. ह्या काळखांतूच म्हजें सर्वस्व आसा. हांव आजुनूय या घरांत म्हज्या वैभवांत जगतलों.
म्हज्या पूर्वजांच्या पितरांनो, तुमी म्हजेकडेन राखण

करूंक दिल्लो हो म्हालमतो. बेंस गेलें. अुल्लां तें फकत घर. तेंवूय वगडांव ? तुमी म्हाका जाप दिचारचेना ? गांवाच्या देवदेवतांनो, खंय गेले रे तुमी सगळे ? गेले त्या भिजूड मनशांच्या फाटल्यान तोंड घेवन ? हावें तुमच्या मानभौमानांक केन्नाच काडयेचें अंतर दिलें ना, म्हण तुमी हें म्हज्या पदरांत घातलें ? चैत्रेचो अुत्सव भोगपी सोमेश्वरा तुकां हे मठयेचो मात्तूय कसो धेक अुल्लो ना ? नेमान कोंब्याचो मान सोदपी वागऱ्या, म्हजे हे हाल पळोवन तूं वगी कसो ? म्हजे मठयेंतलीं पडिल्लीं पणगां अुबीं करपी जाग्याच्या देंवचारा, तुज्या बळग्याचो अंत जालो काय कितें रे ? जाग्याच्या ब्राम्हणा, ही हळशीकाय तुज्यान कशी सोसूंक जाता रे ? पूर्वचाऱ्या, रौदीच्या, खेतरपाळा, म्हाका असो नागोवन अुबांतरा वडयसर तुमी असो वगी कित्याक रे ? पायां पडटां तुमच्या, पराथितां तुमका. नाक घासतां तुमच्या मुखार म्हजें भाटकारपण, म्हजें सुख म्हाका परत दियात. म्हजें हातासलेलें वैभव म्हाका परत मेळोवन दियात.

(अकस्मात पयसुल्ल्यान घाटींचो घणघण जाता. अुजवाड जाता. भाटकाराच्या कानांर अुतरां सादतात· ‘तथास्तु ऽ ऽ तूं मागता तें मेळटलें ! ’ आवाजाचें पर्तावण जाता. ल्हवूल्हवू भाटकार अुठटा. मुख अुजळ्ळां. ताच्यांत आदल्या भाटकाराचो ताव झत आयला. हांसता.)

म्हजें भाटकारपण म्हाका परत मेळ्ळें. अंता ऽ ऽ

(अंता भायरसून धांवत येता आनी पायांर घालून घेता.)

आता पायां पडटा ?

अंता : चुकलों भाटकारा.

भाटकार : अदूचो खंड खंय ?

अंता : फाल्यां हाडटां भाटकारा.

भाटकार : आज कित्याक ना ?

अंता : आतां हाडूं ?

भाटकार : तुवें हाडपाची गरज ना.

अंता : कोणायकडेन धाडटां.

भाटकार : गरज ना. तुजे बायलेक खंड घेवन धाड.

अंता : (वगी)

भाटकार : धाडटलो काय ना ?

अंता : धाडटां भाटकारा.

भाटकार : चलो खंय ? म्हगेल्यो म्हशी राखपाक राखणो जाय.

अंता : तो शिकता.

भाटकार : चुट्टी लाय ताच्या शिक्षणाक. म्हशीचे फाटीर शिरीची गांठ चोर म्हणजे.

अंता : हय भाटकारा.

भाटकार : चल वच. वतना मारीजाकीनांक कामांक आपयलां म्हण सांग.

अंता : कसल्या कामांक ?

भाटकार : परती जाप नाकां. सांगलां तें कर. करचोना ?

अंता : करतलों. करतलों.
(काळोख जाता. माची उजळटा. फकत भाटकार आसा.)

भाटकार : (हांसता)

माणिक : (भायरसून येत) अितले हांससर कसली खोस जाल्या?

भाटकार : माणिक मुगो !

माणिक : माणिक म्हणपाचें आनी गळ्यांत घालपाचें ना. असल्यांनी कशें जातलें ?

भाटकार : चैत्रेक थोडे दीस अुल्ल्यात !

माणिक : फकत आठ दीस. अंदू चार दिसांखातीर येवन चलचें ना. म्हाका हे आठूय दीस हचा पावलांची सेवा घडूंक जाय.

भाटकार : अंदू अशी अुमेद ?

माणिक : अुमेद दर वर्सा आसता. पुण आमचे अुमेदीक सांगात दिता कोण ?

भाटकार : रागार काय कितें गो ?

माणिक : रागार जावन वतलें खंय ? आनी तुमचेर रागार जाल्यार तो सोमेश्वर कसो भोगशीत म्हाका ? आतांच भायर सरपाचें करात. तुमचो पांय केन्ना काय म्हज्या घराक लागत अशें जालां.

भाटकार : अंदू कितें खास ?

माणिक : खास कितें ! दर वर्साचो जलसो. जितले दीस रावता तितले दीस स्वारीमुखार नाच गाणी !

भाटकार : नाच गाणी ?

माणिक : वर्साचींच.

भाटकार : म्हण पळोवया.

माणिक : हांगाच ?

भाटकार : म्हज्या अुतराक –

माणिक : तशें न्हय धनयां. तुमचे अुतर खंयूय फुलांसारखें जिखपाक ह्या माणकाक आयुश्य मेळूं.

(भाटकार हांसता. कांयसो काळोख. माची उजळटा. फक्त भाटकार दिसता. भांयरसून ऋुझ येता.)

ऋुझ : पारांबेश सिज्योर देसाय. आमी जिखले.

भाटकार : कितें जालें ?

ऋुझ : हो थारायिल्लों बांद आतां केदींच जावपाक ना. सरकाराचे पांय ताच्याच गळ्यान बांदपाक आमचो विरोधी पक्ष जैतीवंत जालो. तयार जाल्लो बांद आमी आतां मोडून वडयतले आणि सरकारान घेतिल्ली भाटांबेसां परत करतले. तुका परतून हांगा भाटकार म्हुण नंदूक मेळटलें. आमचें सरकार येतकच जाय जाल्यार हो बांद परत बांदपाचे येवजणेचेर विचार करूं येता.

भाटकार : हांव जाणांच आसलों अशें जातलें म्हुण.

ऋुझ : अशें जातलेंच म्हणपाची दर अेकल्याक खात्री आशिल्ली. नाशिल्ली फक्त सरकाराक. सिज्योर सरदेसाय, आमच्या जैतांत तुमचो वांटो व्हड. ह्या बांदाचे चळवळीक लागून आमच्या पक्षाचें बळ वाडलां.

भाटकार : खोशयेची गजाल.

ऋुझ : आमच्या पक्षान तुमचो सत्कार करपाचो थारायला.

भाटकार : म्हजो सत्कार ? शे ! शे !

ऋुझ : तुमच्यानी ना म्हणूक जावचेंना. सत्काराचें भाशण जाय जाल्यार हांव आमच्या सेक्रेटरीकडसून तुमकां बरोवन दितां. म्हगेलीं सगळीं पत्रकां तोच काडटा. बरयता तोच आनी टायप करताय तोच. हांव फक्त आसिनार करतां.

भाटकार : कांय गरज ना. म्हाका येता तशें अुलयन हांव.

ऋुझ : म्हण्टकच तुमी मानून घेतलें. बरें जालें. तुमच्या सत्काराच्या निमतान आमकां सरकारी धोरणाचेर खर टीका करपाक बरी संद मेळटली. आतां हो सरकार कोंसळपाक वगत नाका. सिज्योर सरदेसाय, फुडले दीस आमचेच आसा.

भाटकार : आमचेच. आमचेच.

(दोगूय हातांत हात घेवन मोटमोट्यान हांसतात.

माचयेर काळोख– परत अुजवाड, फक्त भाटकार आसा. भायरसून कांचन येता आनी भाटकाराच्या पायांचेर घालून घेता. कांचनाच्या गळयांत फक्त मंगळसूत्र आसा. सादीशी साडी न्हेसलां.)

कांचन : पापा, पापा म्हाका क्षमा कर. हांव चुकलें रे. हांव चुकलें.

भाटकार : कोणे तुकां हे दशेक पावयलें ?

कांचन : म्हज्या फुटक्या नशिबान.

भाटकार : हांव बापूय जावन तुजें नशिब बदलूंक शकलोंना.

कांचन : आज ह्या दुःखाशिवाय कसलोच सांगात ना.

भाटकार : हांव आसां तुज्या सांगाताक.

कांचन : खरेंच पापा ?

भाटकार : क्षमा केली तुकां.

कांचन : (लागीं वचून) म्हजो पापा तो. ताच्या बेसा अितलेंच ताचें काळीज व्हड.

भाटकार : आमचीं बेसां आतां परत मेळटलीं.

कांचन : जाणा हांव.

भाटकार : तुज्या आंगार अेक्कूय भांगर ना ?

कांचन : फकत हें मंगळसूत्र आसा. पापा, हांव जल्माचें नागवलें. कितलोय शिकलो म्हण मनशाची जात वचना. तो म्हाका सुख दिवंक पावलोना. तुजेकडसून दुडू मेळचेना हें कळटकूच ताणें म्हज्या आंगार आशिल्लें नाशिल्लें तें बुड्डीलें आनी म्हाका अशी रस्त्यावयली भिकारीण करून सोडलें.

भाटकार : हांव सांगतालों तेंच जालें.

कांचन : तोच अणभव आयलो म्हाका.

भाटकार : पुण तो अणभव येवपाक अितले हाल-अुपाद्रे सोंसले.

कांचन : तेन्ना म्हज्या पापाचें आयकल्लें जाल्यार हे दशेक पावचें नासलें.

भाटकार : हांव तुकां परती नवी जीण सुरू करुन दितलों.

कांचन : नाका पापा. दुदान तोंड भाजतकच ताक लेगीत फुकून पियपाचे परिस्थितीक पावलां हांव. म्हाका नवी जीण नाका. हांव आतां तुज्याच सांगाता रावतलें. पापा, हे पिरायेर तुका आदार जाय. हांव दितलें. पापान म्हजे खातीर कितलें केलां ! हावें अितलेंय केले ना जाल्यार पडमूर धूव थरतलें हांव.

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001223

भाटकार : म्हजी धूव ती ...
(वेंगान घेता. काळोख. अुजवाड जाता. फक्त भाटकार दिसता. दारांत प्रताप आसा.)

प्रताप : पापा भितर येवं ?

भाटकार : यो, यो. अकस्मातसो ?

प्रताप : पापा, आयलेबगर राव नजो जालें. पापा, पैशांनी सगळें विकतें घेवं नजो. देखून तुज्या मोगान म्हाका, परत घरा हाडलो. हय पापा. हांव हांगाच रावपाचो निर्णय घेवन आयलां. मुंबय हॉस्पिटल बांदपाची कल्पना हावें सोडून दिल्या. दोतोर ह्या नात्यान म्हजे सेवेची चड गरज आसा ती हांगा.

भाटकार : हांगा खंय ?

प्रताप : हांगा ह्या घरांत. म्हजे दोतोरकेचो चडान चड उपेग जावंक जाय त्या मनशाक जाणे म्हाका दोतोर केलो. पापा, ह्या जाणटेपणांत तुज्या म्हऱ्यांत रावप हे हांव म्हजें कर्तव्य समजतां.

भाटकार : रगताक रगत केन्नांच अंतर दिवचें ना.

प्रताप : हय पापा, केन्नाच दिवंचेना. म्हाका क्षमा केली न्हय पापा ?

भाटकार : तुमचो पापा भायल्यान दिसता तितलो निबर भितर ना पोरांनो.

प्रताप : खरें पापा. पुण आमकां हे वळखुपाक अितलो कळाव लागलो.

भाटकार : पाग्याचीं पाडकां लांब प्रवासांतल्यान गोठ्यांत परततात तें पळोवपाचे भाग्य म्हाका मेळ्ळें
(काळोख जाता. कांय वेळान अुजवाड जाता. भायरसून धोल ताशे वाजतात ताचो पयसुल्यान आवाज. आवाज लागीं लागी येता शिगम्याचो मेळ येता. शबै शबै ! ओ भले भय्या ! शबै शबै शबै ! असो आवाज. भायरसून अेक खेळो पडवेर येता. ताणें शिगम्याचो भेस केला. हातांत-गळ्यांत फुलांच्यो माळा. माथ्याक फेटो. पुडवें, खोमीस आनी कमराक रशमी शेलो बांदला.)

खेळो : भाटकार, तुमी आजून हांगाच आसा ? आज शिगम्याची पुनव हें विसल्ले काय किते ? खेळे तुमच्या दारांत पावल्या. वर्सावळीप्रमाण सगळो गांव लोटला तुमच्या

दारांत.

भाटकार : ह्य मरे. अुगडासूच अुल्लो ना. चल, चल.

खेळो : आनी अशेंच भायर येता? ह्याच भेसान गाराणें घालतले? वर्साचो पोशेंग घालप ना?

भाटकार : ह्य तर. घालपाक जाय. सगळें जशाक तशें जावंक जाय. देवाच्या कार्यांत कांयच अुणे जावंक फावना.

खेळो : आमी आमचे परीन सगळें भार घेवन केलां. अंदू सगळ्यांनी कार्याचो पत्कर आपखोशेन घेतला सगळे भुजां शिवशिवून नाचतात.

भाटकार : तशेंच जावंक जाय. नाचात, म्हज्या खळ्यांत आयच्या दिसा मोटे अुमेदीन नाचात. हांव म्हजो भेस करून येतां. नाचात, नाचात. (भाटकार भितर वता. खेळो पडवेर वता आनी बाकीच्या खेळ्यांक फर्मायता.)

खेळो : भाटकारान सांगलां नाचात. खूब नाचात.
(खेळो भायर वता. भायर शिगम्याची जोत सुरू जाता. आनी मागीर नाच.)

असे खुशालवंती नगरीं कोण राज्य करी बा २
खुशालवंती नगरीं रामराज्य चाले बा २
असे काय वर्णूं थैंची घरां रे गोविंदा
काय वर्णूं थैंची घरां गा जे
असे धाय दिकां वावू थंय गोळे रे गोविंदा
धाय दिकां वावू थंय घोळे गा जे
असे काय वर्णूं थैंची भाटां रे गोविंदा
काय वर्णूं थैंची भाटां गा जे
असे देवाचे देवसभे ताटां रे गोविंदा
देवाचे देवसभे ताटां गा जे
असे काय वर्णूं थैंची शेतां रे गोविंदा
काय वर्णूं थैंची शेतां गा जे
असे भांगरा सारखीं वोतां रे गोविंदा
भांगरा सारखीं वोतां गा जे
असे काय वर्णूं थैंचें सुख रे गोविंदा
काय वर्णूं थैंचें सुख गा जे
असे भूक-लाडू तान-लाडू खूब रे गोविंदा
भूक लाडू तान-लाडू खूब गा जे

असे काय वर्णूं धनयांचे गूण रे गोंविदा
काय वर्णूं धनयांचे गूण गा जे
असे साता जल्मांचें पुण्य रे गोंविदा
साता जल्मांचे पुण्य गा जे

(मोड)

असे खुशालवंती नगरीं रामराज्य चाले
आनी सुखाचो दर्या तिनीपारा डोले

(जोत सोंपतांच भाटकार भितरसून भायर येता. भाटकारान पुडव्याचेर बंडी घातल्या. माथ्याक फेटो आनी हातांत तरसाद. भायरसून व्हदळचो खेळो पडवेर येता.)

खेळो : भाटकार, सगळे गाराण्याक उबे रावल्यात. (खेळो भायर वता. भाटकार हातांत तरसाद धरून वर्सावळीचें गाराणे घालता. लोक 'हय सायबा' म्हुण साथ दितात.)

भाटकार : देवा स्वामी समर्था !

लोक : हय सायबा !

भाटकार : तूं देवधनी, भूमका, मूळमाया, मायभूमका, मायेच्या आकाऱ्या गांवधडयाच्या अधिकाऱ्या, ग्रामजोडत्या, ग्रामपुरुसा, म्हाज्या समर्था !

लोक : हय सायबा !

भाटकार : श्री शिवशक्ती अमृतेश्वरा, ग्रामजोडत्या, ग्रामपुरूसा, म्हाज्या समर्था !

लोक : हय सायबा !

भाटकार : बेताळ, पुर्वस, लक्षीमण, रवळनाथ, रुप्याभगत, म्हादेव, नारायण देव, भूतनाथ, घाडवस, तूं बारा वंससारको देव तूं म्हाज्या समर्था !

लोक : हय सायबा !

भाटकार : आज कोणा वेळाक कोणा काळाक. तुवें कशे रितीन जागभाक दिल्ली. शब्द दिल्लो त्या शब्दाचो तूं आठव कर म्हाज्या समर्था !

लोक : हय सायबा !

भाटकार : आज तुवें कोणा काळाक घडना तें घडोवन, वठना तें वठोवन, मेळना तें मेळोवन दिवन, आज तूं घाटाचो मस्तक, दर्याचो किनारो अशे कैक कीर्तिचो तूं देव म्हाज्या समर्था !

लोक : हय सायबा !

भाटकार : त्याप्रमाण तुवें फळ मारुन थळ जोडलें, निराकाराक आकार करुन, मायेन मायेचें पंचिश्टांचें अेकचीत अेक गणित तुवें केल्लें म्हाज्या समर्था!

लोक : हय सायबा !

भाटकार : अशे गोष्टीक आठ चौक, बारा माने, पांचशी पिळगी ल्हयल्हयावेळ ही गांवग्रस्त प्रजा तुका शरण आयिल्ली आसा म्हाज्या समर्था !

लोक : हय सायबा !

भाटकार : आज तूं काळाचो म्हाकाळ, खोटयाचो वस्ताद, रोगाचो धनवंतरी, अशे कैक किर्तिचो देव तूं म्हज्या समर्था !

लोक : हय सायबा !

भाटकार : आज तूं काळाक शिक्षा करणारो, रोग्याक अमृत पाजणारो तुटलेलें गाठयणारो, शेणलेलें सोडून दिणारो, अशे रितीचो देव तूं म्हज्या समर्था !

लोक : हय सायबा !

भाटकार : तशेच रितीन न्हिदलेल्यांक जागे करणारो, मोन्यांक अुलोवंक लावणारो, तळपटचा सडचार रक्षण करणारो. अशे रितीचो कैक कीर्तिचो तूं देव म्हाज्या समर्था !

लोक : हय सायबा !

भाटकार : त्या प्रमाण तुवें कोणा वेळाक, कोणा काळाक, जाणां खुळचाक मेळयिल्ले, पिश्या खुळचांक सामिल केल्ले, ताणें करून पै पातक फेडून भायर घाल. अन्न वस्त्र दी. तुज्या पायांची सेवा-चाकरी करून घे. गोरवां-वासरांक राखण दी. भुरग्यांबाळांक येस दी आनी बरें कर म्हाज्या समर्था !

लोक : हय सायबा !

(भाटकार अेका हातान तरसाद धरून तसोच तकली बागोवन दोळे धांपून पायां पडटा. अकस्मात भयांकृत आवाज जाता. भाटकार तकली वयर करता तेन्ना मुखार अुदकाची प्रतिमा. अुदकाचो खळखळाट.)

भाटकार : कोण ?
प्रतिमा : अुदक .... दर्या ... सागर ... म्हासागर ...
भाटकार : म्हजे मठयेंत ?
प्रतिमा : हय केन्ना तुगेल्या भागेल्यान हे पडवेर धिरान पावल दवल्लेंना. हांव दवरतां. निर्धास्त .... भिरांत नासताना.
भाटकार : मुखार सरूं नाका. हे तरसादीन कापून वडयन.
प्रतिमा : तरसादीन मनशांक जनावरां लेखून कापूं येतात. अुदकाक न्हय. आनी तुजे कापपाचे दीस सोंपले.
भाटकार : ना.
प्रतिमा : तुजी ही निमाणी धडपड चल्ल्या.
भाटकार : हांव तुका भितर सरूंक दिवचोना.
प्रतिमा : हांव म्हजेभितर तुकां बंदी करूंक सोदतां.
भाटकार : आजून कोणाक हार वचूना.
प्रतिमा : देखुनूच म्हाका मुखार सरचें पडलां. मनशाक मनीस जड जातकूच सैमाक आपणाल्लो प्रताप दाखोवचो पडटा. हांव अुदक. सैमाची निर्मणी. निमाणो स्वास घे. हे धर्तरेवयलें जें जें जुनें तितलेंय हांवें पोटांत घेतलां. निमाणो अुल्लला तूं. तुका गिळटकूच म्हजें काम पुराय जातलें. घे. निमाणो स्वास हड्डुयांन ओडून घे मागीर हांव तुज्या नाका तोंडान रिगून तुकां ह्या संवसाराची शीम हुपूंक लायतां.
भाटकार : तुका कितें जाय ?
प्रतिमा : तुज्या वैभवासकट तुकां गिळंकृत करपाक जाय.
भाटकार : ना. तें शक्य ना.
प्रतिमा : (मुखार सरून) हावें तुजें बेंस व्यापलें. तुजें आंगण व्यापलें. तुजी पडवी.
भाटकार : ना. आनीक मुखार सरपाक मेळचेना.
(फाटीं सरता. प्रतिमा मुखार सरता. सालांत देंवता. अुदकाचो खळखळ आवाज जाता.)
प्रतिमा : आतां हावें तुज्या भितल्ल्या घराचो भागूय व्यापलो. तुज्या सगळ्या घरांत म्हज्या अस्तित्वाचें साम्राज्य पसरलें. आतां तूं खंय वतलो ? यो. आपखोशयेन तुजो जीव म्हाका ओंप.
भाटकार : ना. हांव म्हजो जीव तुका ओपचोना.
प्रतिमा : मागीर तो म्हाका बळजबऱ्यांच घेवचो लागतलो.
भाटकार : ना. हांव अखेरमेरेन तुजेलागीं झुजतलों.

प्रतिमा : व्यर्थ ! (मुखार सरता.)
भाटकार : हांव वयर माळयेर वतलों.
प्रतिमा : तुजे फाटोफाट हांव आसा.
भाटकार : हांव माळयेवयल्यान घराच्या पाश्टार चडटलों.
प्रतिमा : म्हजें साम्राज्य तुज्या पाश्टाच्याय वयर पसरतलें
भाटकार : ना. ना. शक्य ना.
प्रतिमा : आतां हाचेशिवाय दुसरी कसलीच शक्यताय ना.
(भाटकार माळयेचे इस्कादीवयल्यान वयर चडटा. ताचे फाटोफाट प्रतिमा वता. अुदकाचो खळखळ आवाज वाडटा. भाटकार भितरसून सोशेंत सोशेंत म्हणटा–)
भाटकार : हांव माळयेर पावलों.
प्रतिमा : हांगाय म्हजें साम्राज्य.
भाटकार : हांव ... हांव (खशेंता) हांव घराच्या पाश्टार पावलों.
प्रतिमा : हांगाय म्हजें साम्राज्य. (खळखळ) आतां तरी हारलो ? चल, ओंप अपणाक, ओंप तुजो जीव.
भाटकार : ना. ना. हांव आजून मुकलो ना.
प्रतिमा : आजून ? (खळखळ)
भाटकार : ना. आजून ना.
प्रतिमा : आतां ? (खळखळ)
भाटकार : (बुचकळटा. घुस्मटमार चल्ला.)
हांव, हांव तुका घटाघर घोटून वडयतलों.
(पाश्टारसावन सकल अडी मारोल्ल्याचो 'धब्ब' असो आवाज आनी अेक निमाणी किंकाळी. किशोर भितर सावन धांवत येता.)
किशोर : पापा, पापा खंय आसा तू ?
(मेजावयलो लापयांव व्हड करता आनी हातांत घेवन भायर वता. कांय वेळान भाटकाराक फाटकुळेर मारून हाडटा. भाटकार रगतान माखला पुण अेका हातात तरसाद घट धल्ल्या आनी दुसऱ्या हातात माथ्याचो फेटो.)
किशोर : पापा, हें तुवें कितें केलें ?
भाटकार : म्हज्या भाटकारपणांक फाव सारकें हावें केलें हांव जिखलों ! हावें सगळें अुदक घोटून वडयलें. (जीव सोडटा.)
किशोर : (सुस्कारून) मुक्ती !

(पड्टो पडटा.)

WORLD KONKANI CENTRE
1298

LIBRARY
WORLD KONKANI CENTRE
Shakthinagar, Mangalore.

No: Acc. No:

Issued on	Borrower's No. And Signature	Returned on
		1223 / Do: Dev / Arun

A

WORLD KONKANI CENTRE,
SHAKTHINAGAR, MANGALORE

TITLE : पुरुनाथ
तीन आंकी

यणा

रुनाथ

WORLD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.

Acc. No. ____________

1. Books lost, torn, defaced, marked or dam aged in any way shall have to be replaced by the borrower.

2. Books issued can be recalled at any time, if necessary.

HELP TO KEEP THIS BOOK
FRESH & CLEAN

मुक्तताय

पुंडलीक नारायण नायक

"काळाचीं पावलां वळखूंक शीक पापा. जमनीचे बाबतींत रशिया आनी चीनांत कसले आकांताचे बदल घडल्या तें पळय. देशाचे अुत्तरेक जमीनदारांचे कितें जाता तें पळय. थंयच्या सारके हांगा नक्सलवादी ना हाचो अर्थ हांगा सगळ्या थरांत स्वस्थताय नंदता असो न्हय. अेक काळ जमीनदारांचो आसलो. त्या काळाचो लाव ताणी घेतलो, फावलें तांकां. नव्या काळांत तुज्यासारक्या भाटकारांक सुवात ना. जें फाल्यां तुजें अुरचें ना तें जीव मारुन जपून दवरपाची व्यर्थ धडपड कित्याक?"

"आमकां आतां तुज्या अुपकाराचें ओजें नाकां. तुज्या भागेल-पणाच्या जुंवान, मानो मोडल्यो आमच्यो. अितलीं वर्सां घामकश्ट करुन आमचीं शेतां केन्ना आमचीं जालीं ना. अेक कणस केन्ना हक्कान कातरुंक मेळ्ळेंना. नाल्लांक कोंब काडून माड मळबाक भिडयले पुण केन्ना हक्कान अेक नाल्ला बोंडो तोडूंक मेळ्ळो ना. पडंग मळार काजूचीं रानां मातयलीं पुण केन्ना हक्कान काजूची बी वळपाक मेळ्ळी ना. तुवें आमकां पोटाक दिलें पुण कश्टाचें मोल म्हण न्हय. भीक म्हण घातली. आपणाल्या पोशान अुदक पिवपाची भावना आमच्या रगतांत रुजोवपाचो यत्न केलो. आमकां मनीस म्हण केन्नाच जगपाक दिलें ना. चारी वटयां हातासले आमकां. हे पिळगेपुरतें हें पुरो. आमची नवी रोपली तुज्या सांवटाखाला सावटेल्ली आमकां नाकां. आनी ह्याचखातीर आमकां तो बांद जाय. ज्या बांदात हें सगळें बुडून वयतलें आनी मागीर कांयच घडूना अशे भावनेन आमी पडींग सडचार आमचे स्वतंत्र संवसार अुबारतले."

अपुरबाय प्रकाशन वळवय फोंडें गोंय